१६ जुलै २००९

प्रिय श्रीयुत जयराम रमेश,

दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या मसुद्यावेल्या प्रतिक्रियांचें मुल्यमापन करपाची संद दिल्लेखातीर आमी आपले उपकार आटयता. पर्यावरण शिक्षण केंद्र, अहमदाबाद ह्या संस्थेन पुराय देशभर आयोजीत केल्ल्या ३५ परिसंवादांत, वेगवेगळ्या संस्था-समुहांनी उक्तायल्ल्यो लेखी आनी मौखिक प्रतिक्रियांचो आमी अभ्यास केला. ताचे उपरांत केंद्र आनी राज्य सरकार तशेंच मुंबय महानगर प्रशासनाचे प्रतिनिधी तशेंच नुस्तेकार तशेंच बायलांच्या प्रतिनिधींसयत केल्ले चर्चेत आमी कांय शिफारशी तयार केल्या. ज्यो ह्या पत्रांसयत जोडिल्ल्या अहवालांत नमूद केल्यात.

आमी अशी विनवणी करता की दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करची. दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ ची मुळावी चौकट मानून कांय फावो ते बदल विचारांत घेवंचे. खासा करून वातावरण बदलांक लागून दर्याचे पातळेंत जावपी वाड आनी दर्यादिगांवेली जैवविविधताय आनी संपत्तींचेर वाडट्या लोकसंख्येचो दबाव पळयल्यार कांय बदल गरजेचे आसात. पर्यावरण आनी लोकांची उपजिवीका अशा दोनांचोय एकठांय विचार करपी कृतीशील नेमावळीचो विकास करतना हें लक्षांत घेवंचें पडटलें की ताचेर दर्यादिगांसावन ५० कि.मी. वाठारांत रावपी २५ टक्के लोकसंख्येची जीण आनी उपजिवीका आनी लागीं लागीं १ कोटी नुस्तेकार लोकांची जीण अवलंबून आसा. ह्या नेमावळीबरोबरूच दर्या परिसंस्थेचे फायदे आयज आनी फाल्यांखातीर कायमस्वरूपांत जायत रावचे म्हण ग्रामपंचायत, नगरपालिका तशेंच हेर थळाव्या स्वराज्य संस्थांवतीन लोक शिक्षण आनी लोकसंघटन करप लेगीत म्हत्वाचें आसा.

संबंदीत काम एका म्हयन्या भितर पुराय करपाखातीर तुमी आनी मंत्रालयांतल्या अधिकाऱ्यांनी दिल्ल्या तेंक्याखातीर परत एक फावट तुमचे उपकार आटयता.

बरें मागून,

आपले नम्र,

| | |
|---|---|
| प्राध्यापक एम. एस. स्वामिनाथन | डॉ. शैलेश नायक |
| (अध्यक्ष) | (वांगडी) |
| अध्यक्ष, एम.एस.स्वामिनाथन रिसर्च फावंडेशन | सचीव, मिनिस्ट्री ऑफ अर्थ सायन्सेस |
| श्रीमती सुनिता नारायण | श्री. जे. एम. माऊस्कर |
| (वांगडी) | (वांगडी) |
| अध्यक्ष, विज्ञान आनी पर्याभरण विभाग | अतिरीक्त सचीव, मिनिस्ट्री ऑफ वन आनी पर्यावरण |

मांडावळ

| | |
|---|---|
| सार | ३ |
| समितीची कार्यकक्षा आनी कार्य | ५ |
| परिचय : दर्योदग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ ची फांटभूंय | ६ |
| कार्यकक्षा १ : दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ बाबतीन मंत्रालयाकडे आयिल्ल्या प्रतिक्रियांचें मुल्यांकन | १२ |
| कार्यकक्षा १ : समितीच्यो शिफारसी | १४ |
| कार्यकक्षा २ : एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापनापासत धोरण तशेंच कायदेशीर चौकटीविशीं सुचोवण्यो | १५ |
| भविश्यकालीन कार्यावळ | १६ |
| परिशिश्ट | ३१ |

# सार

तारीक १५ जून २००९ दिसा भारत सरकाराच्या पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान प्राध्यापक एम.एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या मसुद्याबाबतीन मुखावेली येवजण सुचोवपाखातीर चार वांगड्यांची समिती स्थापन केल्ली. हे समितीच्या हेर वांगड्यामदीं डॉ. शैलेश नायक, सचीव, मिनिस्ट्री ऑफ अर्थ सायन्सेस; श्री. जे. एम. माऊस्कर, ॲडिशनल – सेक्रेटरी, पर्यावरण आनी वन मंत्रालय आनी श्रीमती सुनिता नारायण, संचालक, सेंटर फॉर सायन्स अँड एन्व्हायर्नमेंट हांचो आस्पाव आशिल्लो. हे समितीची कार्यकक्षा अशे तरेन निश्चीत केल्ली.

१. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार २००८ च्या मसुद्याचेर मंत्रालयाक मेळिल्ल्या सुचोवण्यांचें मुल्यमापन करप.
२. एकवटीत दर्यादिग वाठार वेवस्थापनापासत धोरण आनी कायदेशीर चौकट सुचोवप.

ह्या समितीन केल्ल्या चर्चाविमर्शांत अशें लक्षांत आयलां की दर्यादिग वाठाराकडे संबंदीत साबार प्रस्न आसात जांचेकडे लक्ष दिवप गरजेचें आसा. समितीक मेळिल्लो मर्यादीत काळ मतींत घेवन समितीन अशा प्रस्नांक ह्या रिपोर्टांत अधोरेखीत केल्या, जेणेकरून उपरांत तेबाबतीन पाठपुरावो करप शक्य जावंक पावतलो. हे समितीन अशें सुचयलां की शासनान फुडाकार घेत कांय परिसंवाद घेवन दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ हातूंत कांय फावो ते बदल करचे.

समितीच्यो शिफारशी :
समितीक अशें स्पश्टपणान दिसता की आयज भारतची दर्यादिग दोन वाटांनी असुरक्षीत जाल्या. एका वाटेन, दर्यादिगांचेर उद्येगीक आनी नगरविकासांचो वाडटो दबाव आसा; आनी दुसरे वाटेन, वातावरण बदलांक लागून तयार जावपी चक्रीवादळां! महाकाय वसाडींचे तडाखे आनी हालींच्या तेंपार दर्याच्या पातळेंत जावपी वाड हांचो धोको आसा. हातून दर्यादिग आनी ताचेर रावपी लोकांच्या सरंक्षणाखातीर सदांच दक्ष रावपाची सामकी गरज आसा. तशेंच, दर्यादिग म्हळ्यार नुस्तेकार समाजाचे अधिवास आसात. हो समाज सुध्दा दोट्टी संकटांत आसा. एके वाटेन, दर्या पर्यावरणाचें संवर्धन आनी दुसरे वाटेन विकासाचो अमानवी खेंट आसा. दर्यादिगांचें वेवस्थापन करपाखातीर फुडारांत आंखिल्ल्या धोरणांमदीं हीं संकटां पयस करून एका नव्या विचारांचो स्विकार करचो जातूंत, संकटग्रस्त दर्या परिसंस्था आनी थंय रावपी जनसमुदायांच्या उपजिवीकेची सुरक्षा अशीं दोनूय उदिश्टां एकठांय साध्य करूं येता.

कार्यकक्षा १ बाबतींत शिफारस : दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करप आनी बऱ्या दर्यादिग वेवस्थापनाखातीर फावोत्या गजालींचो दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ हातूंत आसपाव करप.

कार्यकक्षा २ बाबतींत शिफारसी : दर्यादेग वेवस्थापन कार्यावळ

- दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ बाबत जावपी नेमांच्या उल्लंघनाचेर लक्ष दवरप. तेपासत उपग्रहांचेर आदारीत तंत्रज्ञानाचो वापर करून प्रतिबंधनात्मक तशेंच कायदेशीर कारवाय अंमलांत हाडप.

- दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ हातूंत फावो तो बदल हाडून नुस्तेमारी समाज तशेंच तांच्या कुटुंबाचें अधिवास आनी उपजिवीका हांकां राखण दिवप.

- थळावे परिस्थितीचो रासवळ विचार करून मुंबयचो विकास आनी पुर्नविकासाची आडखळ सोडोवप.

- दर्यादेगेवेल्या बंदरांची वाडटी संख्या आनी तांचे उबारणेक लागून दर्यादेगांचेर जावपी परिणामांची दखल घेवन प्रतिबंधनात्मक कारवायेचे नेम तयार करप.

- दर्या म्हळ्यार फुकट सवाय दुशीत उदक सोडपाचो जागो न्हय हें मान्य करून दुशीत उदकाचे प्रक्रियेची नेमावळ आनीक प्रभावी करप.

- फावो ती चर्चाविमर्श करून अंदमान-निकोबार आनी लक्षद्विप जुव्यांखातीर नवीन वेवस्थापन प्रणाली तयार करप.

- कांय नवीन राखणे प्रणालींचो अवलंब करप. उदा. सामक्यो असुरक्षीत दर्यादेगो - मात हें करतना थळाव्या नुस्तेकार कुटुंबांचेर अशा संवर्धन प्रणालींचो कितें परिणाम जातलो तेबाबतीन परिपूर्ण आनी काळजीन विचार जावंचो.

- दर्यादेगेवेल्या चिपांच्या / खारफुटी जंगलांची व्याख्या स्पश्ट करून तांकां राखण दिवप.

- दर्याचे दिकेन आशिल्ले सद्याचे आनी फुडारांतले धोके मतींत घेवन राखणे यंत्रणां उबारप. मात हें करताना नुस्तेकार समाजाचे उपजिविकेचेर विपरीत परिणाम जावंचो ना हाची जतनाय घेवंची.

- दर्यादेगेबाबतीन सगळ्या वाटांनी संशोधन आनी नियमन करपाक येतले अश्यो येवजण्यो आंखप.

- दर्याच्या पातळेंत जावपी वाड आनी सुरक्षीत दर्यादेगांचो धोको लक्षांत घेवन ताका तोंड दिवंपाक येतलें अशा धोरणांची आंखणी करप.

# १. समितीच्यो कार्यकक्षा आनी कार्य

तारीक १५ जून २००९ दिसा भारत सरकाराच्या पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान प्राध्यापक एम.एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या मसुद्याबाबतीन मुखावेली येवजण सुचोवपाखातीर चार वांगड्यांची समिती स्थापन केल्ली. हे समितीच्या हेर वांगड्यामदीं डॉ. शैलेश नायक, सचीव, मिनिस्ट्री ऑफ अर्थ सायन्सेस; श्री. जे. एम. माऊस्कर, ॲडिशनल – सेक्रेटरी, पर्यावरण आनी वन मंत्रालय आनी श्रीमती सुनिता नारायण, संचालक, सेंटर फॉर सायन्स अँड एन्व्हायर्नमेंट हांचो आस्पाव आशिल्लो. हे समितीची कार्यकक्षा अशी निश्चीत केली.

१. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार २००८ च्या मसुद्याचेर मंत्रालयाक प्राप्त जाल्ल्या सुचोवण्यांचें मुल्यमापन करप.
२. एकवटीत दर्यादिग वाठार वेवस्थापनापासत धोरण आनी कायदेशीर चौकट सुचोवप.

हे समितीन MOEF CMZ च्या मसुद्याबाबतीन प्राप्त जाल्ल्या प्रतिक्रिळांचें मुल्यमापन केलें. समितीन पांच सभा घेतल्यो तातूंत, CMZ चेर प्रतिक्रिया नोंदयल्ल्या वेगवेगळ्या गटांच्या प्रतिनिधींचोय आस्पाव आशिल्लो.

- २७ जून २००९ – दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ आनी दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ हे बाबतीन भासाभास.
- ७ जुलै २००९ – केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या प्रतिनिधींवांगडा भेट.
- ८ जुलै २००९ – चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीच्या प्रतिनिधींवांगडा भेट.
- ११ जुलै २००९ – संस्था आनी नुस्तेकारांच्या संघटनांच्या प्रतिनिधींवांगडा भेट.
- १६ जुलै २००९ – निमणो रिपोर्ट तयार.

# २. वळख : दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ ची फाटभूंय

भारतीय दर्यादिगेच्या राखणेचे प्रयत्न अयशींच्या दशकांत तेन्नाचे पंतप्रधान श्रीमती इंदिरा गांधी हांच्या फुडाकारान सुरू जाले. १९८१ वर्सा, श्रीमती इंदिरा गांधी हांणी दर्यादिग लाबिल्ल्या सगळ्या राज्यसरकारांक दर्यादिग वाठारांत विकास करतना घेवपाची प्रतिबंधात्मक जतनायेविशीं सुचोवण्यो धाडल्यो. ताका धरून उबारिल्ल्या पावलांचो परिणाम म्हूण रेवेंच्या चौपाट्यांची सामकी परिणामकारक राखण जाल्ल्याचें दिसून आयलां. फेब्रुवारी १९९१ त भारत सरकाराच्या पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान, दर्यादिगांवेल्या विकास कामांचेर नदर दवरपाखातीर पर्यावरण (संरक्षण) कायदो, १९८६ वरवीं दर्यादिग नियन वाठार अधिसुचोवणी जारी केली. ही अधिसुचोवणी इंग्लीशींत सी.आर.झेड. नांवान वळखतात.

दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ वरवीं दर्या ल्हारांच्या भरतीरेशेसावन ५०० मीटर जमनीकडल्या वाठारांनी आनी जमनीच्या दिकेन भरतेचो प्रवाह भितर येवपी खाडी, न्हंयमूख आनी उपसागर वाठार आदी भरतीरेशेसावन १०० ते १५० मीटरांमदीं विशीश्ट विकासकामां वा गजालींक प्रतिबंध वा नियमन केला. ह्या ५०० मीटर वाठारातले जमनीचो उपेग करपाबाबत चार प्रकारांची वर्गवारी केल्या.

दर्यादिग नियमन वाठार-एक (पर्यावरणाच्या नदरेन संवेदनशील आनी भरती-सुकती मजगतींचो वाठार); दर्यादिग नियमन वाठार-दोन (नागरी वा विकसीत वाठार); दर्यादिग नियमन वाठार-तीन (ग्रामीण वाठार) आनी दर्यादिग नियमन वाठार-चार (अंदमान तशेंच निकोबार आनी लक्षद्विप जुवीं)

फाटल्या १८ वर्सांनी पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान हे अधिसुचोवणेंत २५ फावटी दुरूस्ती केल्या. दर्यादिग निमयन वाठाराची अंमलबजावणी लेगीत खूब फावटी देशांतल्या वेगवेगळ्या न्यायालयांच्या आदेशांच्या पालवान जाताली. तारीक १८ एप्रील १९९६ ह्या दिसा माननीय सर्वोच्च न्यायालयान दिल्ल्या निर्देशांक धरून मंत्रालयान राष्ट्रीय तशेंच राज्य पावंड्यार दर्यादिग वाठार वेवस्थापन प्राधिकरणांची स्थापणूक केली. पर्यारण (संरक्षण) कायदो, १९८६ वरवीं जारी केल्ल्या दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ च्या अंमलबजावणीपासत अशा राज्य वा केंद्र शासीत प्रदेशांतल्या प्राधीकरणांची स्थापणूक करप कायद्यान बंधनकारक जाता. मात, हे मजगतीं अधिसुचोवणेंतले तरतुदीचेर मुल्यमापन करपाची मागणी मुखार आयली. अशें नेमान लक्षांत येत रावलें की दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेची अंमलबजावणी फावो तशी जावपाक शकली ना. हे फांटभुंयेर, २००४ वर्सा पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान प्राध्यापक एम. एस. स्वामीनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला एका तज्ञ समितीची स्थापणूक केली. हे समितीमुखार दर्यादिग नियन वाठार अधिसुचोवणेचें मुल्यांकन करून दर्यादिगांबाबत ठोस कार्यावळी सुचोवपाचें उद्दिश्ट आसलें. फेब्रुवारी २००५ त हे समितीन पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाक आपलो रिपोर्ट सादर केलो. ह्या रिपोर्टांत, दर्यादिग वाठारांत रावपी जनसमुहांचे उपजिवीकेची राखण करप आनी दर्यादिगांचें संवर्धन करप, हेबाबतीन ठोस सुचोवण्यो आशिल्ल्यो. त्यो सुचोवण्यो मुखार दिल्यात.

दर्यादिग वाठार वेवस्थापन : एम. एस. स्वामीनाथन रिपोर्ट, २००५ तल्यो मार्गदर्शक सुचोवण्यो –

- आपल्या अन्न आनी उत्पन्नापासत दर्या संपत्तीचेर अवलंबून आसपी नुस्तेमारी कुटुंबांचे अधिवास आनी उपजिवीकेची राखण करप तशेंच, दर्यादिगेर शेत कसपी समुहांक आशिल्ल्या संभाव्य धोक्यांकडेनूय लक्ष दिवप.
- रामसार वाठार आनी ऑलिव्ह रिडले कासवांची प्रजनन वाठारांसयत दर्यादिगेर आशिल्ल्या सैमीक आनी सांस्कृतीक वारसो वाठारांचें संवर्धन करप.
- चिपां / खारफुटी आनी बिगर–खारफुटी वनस्पतींचे आवरण तशेंच जैवविविधताय संवर्धनांतल्यान दर्यादिगांवेले पर्यावरणीय प्रबंधन चड सुरक्षीत करप.
- हवामान बदलांखातीर दर्याच्या उदकांत जावपी वाड, सुनामी वसाडी आनी चक्रीवादळांचो धपको आदीं. संकटांक सामकारा वचपाची तांक दर्यादिगांचेर रावपी जनसमुहांत आनीक बळीश्ट करप.
- दर्याच्या उदकाचें प्रदूशण आडावप, जेणें करून थळाव्या बाजारांत विकपी नुस्तें आनी हेर उत्पादनां वा निर्यातीचीं उत्पादनां अबाधीत रावतलीं. आनी ताका लागून ल्हान सान नुस्तेकार कुटुंबाचें उत्पन्न धोक्यात येवंचें ना.
- दर्यादिग वाठारांत रावपी २५ कोटी लोकांचे जीव आनी उपजिवीकांचें संरक्षण करपापासत येवजण आखप तशेंच मुंबय, कोलकता, चेन्नय, कोची, विशाखापट्टनम् आदी. महानगरांक दर्याच्या वाडट्या पातळीचो फटको बसचो न्हय म्हूण प्रतिबंधनात्मक उपाय येवजण आंखप.
- वयलीं उदिश्टां मेळोवपापासत दर्यादिग आनी जमनीकडलो वाठार हांचो एकठांय विचार करून लक्ष पुरवप गरजेचें आसा.

मे २००८ त मंत्रालयान दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी मसुदो जाहीर केला. तशेंच तातूंत ग्रीन फिल्ड एअरपोर्ट वाठाराचो आस्पाव करपाची दुरूस्तीय जोडल्या.

पर्यावरण (संरक्षण) कायदो, १९८६ हाका धरून हो मसुदो घोशीत करून तो जाहीर केल्ल्या तारकेसावन ६० दिसांच्या भितर ताचेर लोकांच्यो सुचोवण्यो आनी हरकती मागयल्ल्यो. तामीळनाडू, गोंय राज्य सरकार आनी पाँडीचेरी हांगसरल्या प्रशासनान केल्ल्या विनवणेवेल्यान हो मसुदो तारीक २२ जुलै २००८ दिसा पुर्नअधिसुचोवणी कालावधी वाडयलो.

दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी हातूंतले कांय फरक अशे :

- दर्यादिग वेवस्थापन अधिसुचोवणेंत भरती आनी सुकते मजगतीचो वाठार आनी भरतीरेशेसावन जमनीच्या वाटेन ५०० मीटर मेरेनच्या वाठाराचें नियमन करपांत आयलां. हातूंत सुकतेतलें दर्या उदकवाठार आस्पावंक ना. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणे अंतर्गत दर्याच्या वाटेन १२ नॉटीकल माईलमेरेनचो वाठार आनी जमनीच्या वाटेन ग्रामपंचायत / महापालिका वा पर्यावरणीय

रेशा, उदा. भरती - सुकतेक लागून पाणथळ वाठार आनी दर्याच्या भागाचो आसपाव केला.

- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणीवरवीं पुराय देशांतल्या दर्यादिगांचेर भरती रेशेसावन जमनीच्या वाटेन ५०० मीटरमेरेन आशिल्ल्या पुराय वाठारांतल्या कारवायांचें नियमन करतात. हो नेम फकत ५०० मीटराच्या मर्यादेमेरेनूच लागूं आसून त्या भायल्या एखाद्र्या पर्यावरणाचे नदेरन अतिसंवेदनशील वा असुरक्षीत वाठार जाका ५०० मीटराच्या भायर आसूनय संरक्षणाची गरज आसा, ताका लागूं जायना.

- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत नियमनाचे वाठार थारावपाखातीर सेटबॅक लाईन नांवाची संकल्पना मांडिल्ली आसा. ही सेटबॅक लाईन त्या त्या दर्यादिगांवेल्या असुरक्षीत वाठाराची व्याख्या त्या भागंतल्या दर्यादिगांची उंची, भू-जैव परिस्थिती, दर्याच्या पातळेच्या स्थितीबाबतींतलो अदमास आनी दर्यादिगांची वाड वा झरप हाचेवेल्यान करतले. थोडक्यान अशें की दर्यादिग वेवस्थापन वाठार ५०० मीटरापरस कमी वा चड हें त्या त्या वाठाराच्या असुरक्षतेप्रमाण थारता. ही सेटबॅक रेशा दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी घोशीत केल्ल्या तारकेसावन दोन वर्सांच्या भितर आंखून दिल्ल्या अधिकृत संस्थेन आंखून दिवपाक जाय.

- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत दर्यादिगांच्या संरक्षण आनी प्रतिबंधनात्मक कारवायांखातीर चार भागांत विभागणी केल्या. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार हीच विभागणी लागीं लागीं सारकी आसली तरी नियमनाचे पध्दतींत बदल केला. दोनूय अधिसुचोवण्यांत वाठार-एक म्हळ्यार पर्यावरणाचे नदरेन अतिसंवेदनील भाग थारायल्लो आसा. हातूंत फरक आसा तो असो की दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी वाठार-फरक हो ना-विकास वाठार अशें मानून सामक्यो मर्यादीत स्वरूपांत कांय गजाली ह्या भागांत करपाची मान्यताय अधिसुचोवणेंत दुरूस्ती करून मेळयल्या. पूण, दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत अशें नासून वाठार-एक हातूंत दर्यादिग वाठार वेवस्थापन येवजणेप्रमाण थारायिल्ल्यो कितल्योश्योच गजाली करपाची मेकळीक दिल्ली आसा. दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंत वाठार-दोन ह्या वर्गवारींतल्या नियमनाचो वाठार भरतीरेशेसावन जमनीच्या वाटेन ५०० मीटर आसून नागरी आनी नगरपालिका हद्दीकूय तें बंधनकारक आसा. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत वाठार-दोन ह्या वर्गवारींत सगळेच नागरी आनी उद्येगीक वाठार तेचबरोबर कांय विशेश लक्ष दिवपाची गरज आशिल्ल्या वाठारांचो आसपाव आसा. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी आशिल्ल्या नागरी आनी ग्रामीण वाठार असो फरक हातूंत केल्लो ना. तेचप्रमाण, दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी आशिल्ली ५०० मीटराची मर्यादा हातूंत नासून पुराय नगरपालिका वा महानगरपालिका वाठार आसपावन घेतला. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतले वाठार-तीन हातूंत हेर सगळ्या उकत्या जागांसयत दर्यातलें उदक आनी भरती-सुकतेक लागून जमनीकडलो प्रभावीत वाठार आसपाविल्लो आसा. दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी आनी दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी ह्या दोनाय भितर वाठार-चार हातूंत अंदमान आनी निकोबार आनी लक्षद्विप जुव्यांचो आसपाव आसात. फरक इतलोच की दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंत ५०० मीटराची नियमन वाठार मर्यादा आसा आनी दर्यादिग वेवस्थापन अधिसुचोवणेंत पुराय जुवो एकवटीत येवजणेवरवीं वेवस्थापन

वाठार मानला.

- दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-दोन आनी वाठार-तीन हाचेवरवीं प्रतिबंधीत आनी परवानगी आशिल्ल्या गजालींची यादी आसा, तशेंच वाठार-एक हातूंत सामक्या मर्यादीत स्वरूपांत विकासाक मान्यताय आसा. (अदीक म्हायती परिशिश्ट दोनांत दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या परवानगी फावो त्या कामांची यादी ह्या नांवाखाला दिल्या.) दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतले वाठार-एक आनी वाठार-दोन हांच्या वेवस्थापनाखातीर एकवटीत दर्यादिग वेवस्थापन येवजण करपाचें प्रयोजन आसा. ही येवजण तयार जाल्यार ती केंद्र सरकारावतीन मंजूर करून घेवंची पडटा. सगळ्यान म्हत्वाचें म्हळ्यार सेटबॅक लाईन निश्चीत केल्ल्या वाठारांतलीं विकासाखातीरचीं कामां संबंदीत अधिसुचोवणी लागूं केल्ल्या तारकेसावन त्या त्या वाठाराच्यो नगररचना आनी नियोजनाच्या नियमनांप्रमाण करपाचें प्रयोजन आसा. हांगा भरती रेशेसावन जमनीच्या वाटेन ५०० मीटर प्रतिबंधीत वाठाराची अट नासून पुराय नगरपालिका वा महानगरपालिका वाठार वेवस्थापनाभितर आसपावल्लो आसतलो. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या वाठार-तीन हातूंत परवानगी आशिल्ल्या कामांची यादी अधिसुचोवणेच्या परिशिश्ट स त दिल्या. ह्या अधिसुचोवणेच्या परिशिश्ट चारांत, वेगवेगळ्या स्तरांचेर जावपी कामांखातीर परवानगी दिवपी यंत्रणेची म्हायती दिल्या. उदा. पारंपारीक पध्दतीन नुस्तेमारी करप्यांखातीर गरजेचे बर्फाचे कारखाने आनी भुगा करपाची सोय करपाखातीर फावो ती परवानगी थळाव्या यंत्रणेकडल्यान घेवपाक मेळटा. तेचप्रमाण, जेट्टी वा नुस्तेमारीचें बंदर उबारपाखातीर राज्यस्तरीय दर्यादिग वाठार वेवस्थापन प्राधिकरणाची परवानगी गरजेची आसता. अशेच तरेन एकवटीत बंदर, जेट्टी वा जहाज बांदून दवरपाखातीर जागा उबारपाक पर्यावरणीय परिणाम मुल्यमापन अहवाल प्राप्त जाल्या उपरांत केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाकडल्यान घेवपाक मेळटा.

# ३. दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या मसुद्याचेर प्रतिक्रिया

ही अधिसुचोवणी काडल्या उपरांत केंद्रीय पर्यावरण आनी वनमंत्रालयाक राज्य सरकारासावन ते नुस्तेंकार संघटनांमेरेन वेगवेगळ्या संस्थांकडल्यान मोठ्या प्रमाणान सुचोवण्यो आनी हरकती आयल्या. हेखातीर गरजेचे आशिल्लें स्थित पर्यावरण देशभरांत करपाखातीर मंत्रालयान अहमदाबादांतल्या पर्यावरण शिक्षण केंद्र ह्या संस्थेची नेमणूक केल्या. पर्यावरण शिक्षण केंद्रान देशभरांत थळावो जनसमुह आनी स्वंयसेवी संस्थांच्या प्रतिनिधींसयत वट्ट ३५ जन-परिसंवाद घडोवन हाडल्या. आनी तांचो एकठांय अहवाल सप्टेंबर २००८ त मंत्रालयाक सादर केलो. तारीक २७ जून २००९ दिसा आयोजीत केल्ल्या समितीच्या पयल्या सभेंत ह्या जन-परिसंवादांतल्या अहवालातले ठळक मुद्दे पर्यावरण शिक्षण केंद्र संस्थेच्या संचालकांनी मांडले.

पर्यावरण शिक्षण केंद्रान घेतिल्ल्या जन-परिसंवादांतले ठळक मुद्दे -

- दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी परत लागीं करची तशेंच तातूंत सुदारणा करची. तेचप्रमाण सेट बॅक लाईन, पर्यावरणाच्या नदरेन संवेदनशील वाठार, एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन आनी वेवस्थापन पध्दती आदी संकल्पना अदीक स्पश्ट जावंच्यो.

- जर परिणामकारक अंमलबजावणी आनी अधिसुचोवणेचें उल्लंघन करप्यांक कडक शिक्षा अंमलांत हाडली जाल्यार कांय सुदारणांसयत सद्याची दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त दर्यादेग वाठार वेवस्थापनाक फावो तो वाव आसा.

- दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ ची निर्मिती प्रक्रिया आनी मसुदो तयार करपाक वेगवेगळ्या संबंदीत संस्था-समुहांचो, चड करून थळाव्या समुहांचो सहभाग घेवप गरजेचें आसा.

- दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ तल्या वेवस्थापनाच्या पध्दतीन परिस्थितीचो वस्तूनिश्ठ अर्थ लावपाचो उणाव आसून ताचो वापर वेपारी हेतून प्रेरीत आशिल्ल्या गजालींक पुरस्कृत करपाक आनी कायदेशीर मान्यताय मेळोवन घेवपाक जावंक शकता.

- दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ विशेश अर्थिक वाठाराचो पुरस्कार करतली, ताका लागून थळाव्या जनसमुहांच्या हक्कांक न्हयकारत दर्यादेग वाठार आनी संसाधनां उद्येगीक मळाक वापरपाखातीर मेकळीक मेळटली.

- दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्यो वेवस्थापन पध्दती आनी रचनामदीं थळाव्या स्वराज्य संस्था आनी राज्य सरकाराची भूमिका नीट स्पश्ट जातना दिसना. नियोजीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणेचे प्रक्रियेंत थळाव्या जनसमुहांचे हक्क आनी पंचायत वेवस्थेंतल्या लोकप्रतिनीधींच्या थळाव्या पर्यावरणाविशीं नियोजन करपाच्या कामांत सहभाग घेवपाखातीर व्हडलोसो वाव दवरूंक ना.

- दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ च्या मूळ उद्दिश्टांकूच बादीकार हाडपी कांय दुरूस्त्यांकडे पळयल्यार दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ मदीं लेगीत अशा प्रकारचे बदल आनी दुरूस्ती हाडपाचो भंय आसा आनी ताचो वायट धपको नुस्तेकार समाजाक बसपाची शक्यता चड आसा.

- दर्यादिगांवगल्या नैसर्गिक परिसंस्था आनी दर्यादिगांचेर परंपरागत रावपी जनसमुहांचे मुळावे हक्क हांच्या संरक्षणाची हमी घेवपी दर्यादिग वेवस्थापनाविशीं कायदो अस्तित्वांत येवंचो. राज्य विधी मंडळांतल्या लोकप्रतिनिधींनी दर्यादिगेविशीं संबंदीत विशयांवेल्या धोरणांचेर खोलायेन भासाभास करून ह्या कायद्याची निर्मिती करची. असो कायदो अस्तित्वांत येयमेरेन दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ खंयच्याय दुरूस्तीबगर कडकपणान अंमलांत हाडची तशेंच उल्लंघन करतल्यांक कडक शिक्षा जावंची.

२००८ त विज्ञान आनी तंत्रज्ञान, पर्यावरण आनी वनां हांचेवेल्या संसदीय समितीन दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या मसुद्याचो अभ्यास केला. संसदीय समितीन हेबाबतीन आपलें मत मांडटना अशें नमूद केलां की, मंत्रालयान संबंदीत संस्था समुहांचे खासा नुस्तेकार आनी दर्यादिगांचेर रावपी थळाव्या जनसमुहांच्या हिताआड येवपी प्रश्नांचो निकाल लावंचे पयलीं दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ ची अंमलबजावणी करपाची घाई करची न्हय. हे समितीन अशी शिफारस केली की जोमेरेन दर्यादिगेर रावपी थळाव्या जनसमुहांचो फावोतो सहभाग मेळोवन दिवपी कायदेशीर यंत्रणां अस्तित्वांत येयना तोमेरेन ही अधिसुचोवणी तात्पुरती स्थगीत करची.

# ४. कार्यकक्षा १ : दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ बाबतीन मंत्रालयाकडेन आयिल्ल्या प्रतिक्रियांचें मुल्यांकन

दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ बाबतीन मंत्रालयाकडे आयिल्ल्या लेखी प्रतिक्रियांचो अभ्यास केला. उण्यांत उणो वेळ मेळ्ळा आसतनाय समितीन हेविशीं केंद्र सरकार, राज्य सरकार, भौशीक वाठार, खाजगी वेपाराचो वाठार, नुस्तेमार संघटना आनी पर्यावरणवादी संघटनांच्या प्रतिनिधींसयत चर्चा केली. (हे संबंदान परिशिश्ट तीनांत आयिल्ल्या प्रतिक्रियांचो सार आनी परिशिश्ट चारांत सभेचो वृत्तांत मांडला. हे संबंदान केल्लें मुल्यांकन आनी चर्चा विमर्शांतल्यान मुखार आयिल्ले ठळक मुद्दे अशे –

- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या मसुद्याक सगळेकडल्यान विरोध आसा. सगळ्या आठ राज्य सरकारांनी लेखी प्रतिक्रिया नोंदयताना दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ फाटीं घेवपाची शिफारस केली. ह्या अधिसुचोवणेच्या मसुद्याक नुस्तेकार आनी पर्यावरणवादी संस्था – संघटनांनी लेगीत विरोध केला. इतलेंच न्हय तर बांदकाम वेवसायीक आनी खाजगी मळांनी लेगीत हाच्या मसुद्याविशीं आक्षेप उक्तायल्यात.

- ह्या मसुद्यांत मांडलेल्यो शास्त्रीय वेवस्थापन पध्दती म्हळ्यार सोयीचे अर्थ लावन स्वार्थ सादपाखातीर मोकळीक निर्माण करता अशी सगळीकडे भावना आसा. हातूंत वापरिल्ल्या शास्त्रीय संस्था खासा करून सेटबॅक लाईन थारोवप हे बाबतीन घुस्पागोंदळ आसा. सेटबॅक लाईनीविशीं तर सगळ्याच गटांमदीं एकमत आसा की ती थारायतना शास्त्रीय आनी म्हायितीच्या स्तराचेर खूब दोश आसात आनी ताका लागून तिच्या अंमलबजावणींत कळाव जावपाक शकता. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ चे पुरस्कर्ते आसपी खाजगी विकास लेगीत ह्या सेटबॅक लाईनीचो तांकां नेमको कितें उपेग जावपाक शकता हे बाबतीन गोंदळांत आसा. तेचबरोबर ह्या मसुद्यांत सातत्याचो अभाव आनी संज्ञाचे अर्थ वा प्रस्तावांबाबत अस्पश्टता आसा. ताका लागून मसुद्यातले तरतुदींचे सोयीचे अर्थ लावपाची आनी वेवहारीक अडचणींक तोंड दिवपाची दाट शक्यता आसा. हाका लागून एकंदर दर्यादिगांकूच धोको तयार जावपाचो दुबाव आसा. हाचे उरफाटें भासाभासांतल्यान अशें मतींत आयलां की ५०० मीटराच्या मर्यादेची दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी तरतूद काळाच्या आनी अणभवांच्या पातळीचेर अदीक आपणावपी आसा.

- असोय भंय उक्तो जाता की मदल्या काळांत ज्या काळांत सेटबॅक लाईन आखपांत येतली आनी एकवटीत दर्यादिग वाठार वेवस्थापन येवजण करून तिका केंद्र सरकाराकडल्यान मान्यता मेळटली – त्याच काळांत अधिसुचोवणी उल्लंघनाचे खूब प्रकार घडोवन तांकां येवजणेवतीन मान्यता मेळोवन घेवपाखातीर कांय लोक यत्न करतले. देशांतल्या मत्स्यउद्योगाखातीर नोडल एजन्सी आशिल्ल्या केंद्रीय कृषी मंत्रालयान अशी विनवणी केल्या की अधिसुचोवणी लागूं करचे पयलींच सेटबॅक लाईन आंखून दिवंची. मुखार कृषी मंत्रालयान अशेंय नमूद केलां की सेटबॅक लाईनीची व्याख्या घुस्पागोंदळाची आसून तिचो चुकीचो अर्थ काडूंक शकता.

- दुसरी सामकी म्हत्वाची गजाल मर्यादा वाठाराबद्दल आसा. ज्या वाठारांत मोठ्या प्रमाणान वेपारी कारवायो वाडटल्यो आनी दर्यादिगांचेर शारीकरण वाडटलें. कर्नाटक आनी केरळ राज्य सरकारान

असो भंय उक्तायला की दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ चें उल्लंघन करून उबारिल्लीं कामां दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त नियमीत करून घेतले. गोंय सरकारानूय सद्याच्या उल्लंघनाच्या प्रकरणांचेर कारवाय करपाखातीर गरजेच्या कायद्याची गरज उक्तायल्या. महाराष्ट्र सरकारान अशें मत मांडलां की दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक लागून दयादेगांचेर वेपारी हेतून प्रेरीत गजालींक मोकळीक मेळटली. ओरिसा सरकारान अशें मत दिलां की संवेदनशील पर्यावरण भागांत खुबशा कारवायांक ह्या अधिसुचोवणेक लागून मोकळीक मेळटली. हें वेगळें सांगपाची गरज ना की अशा कारणांक लागून सगळ्या पर्यावरणावादी संस्था-संघटनांनी दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ क खर विरोध केल्लो आसा.

- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या मसुद्यांत नुस्तेकार समाजाच्या उपजिवीकेच्या हक्कांकडेन दुर्लक्ष केलां. नॅशनल फिशवर्कर्स फोरमान अशें म्हटलां की ह्या अधिसुचोवणेक लागून थळाव्या जनसमुहांचो दर्यावेलो हक्क काडून घेवन वेगवेगळ्या वाठारांतल्या वेपारी आनी मोठ्या गुंतवणूकदारांचें हीत जपतलें. सरकारी आनी बिगर-सरकारी अशा दोनूय संस्थांकडल्यान हीच भावना व्यक्त केल्या. केरळ सरकारान स्पश्टपणान अशें कळयलां की दर्याचेर नुस्तेकार समुहांचो परंपरागत हक्क आसा आनी तांकां तांच्या हक्काच्या घरासावन पयस व्हरचे न्ही.

- पर्यावरण शिक्षण केंद्रान आयोजीत केल्ल्या जन-परिसंवादांत वांटेकार जाल्ल्या लोकांक थळाव्या भाशेंत दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी विशीं साहित्य वांटलें. मात, अधिसुचोवणी ह्या पध्दतीन लोकांखातीर केन्नाच उपलब्ध जाली ना वा ताचेर दर्यादिगांवेल्या गांवांत चर्चा घडोवन हाडूंक ना. असोय भंय उक्तायला की ह्या अधिसुचोवणेवतीन सुचयल्ले बदल लोकांच्या नीट लक्षांत येवंक ना वा दर्यादिगांचेर रावपी लोकांनी मोठ्या संख्येन हाका विरोध केला. ताणीं सादर केल्ल्या मागणेंत अशे स्पश्ट केलां की अधिसुचोवणी घोशीत करचे पयलीं तांचो सहभाग गरजेचो आसा.

- सद्या अस्तित्वांत आशिल्ल्या ३२ वांगड्यांच्या राष्ट्रीय शाश्वत दर्यादिग वाठार वेवस्थापन मंडळाचेर खुपश्या संस्थांनी आपल्या प्रतिनिधींत्वाची मागणी केली.

- ह्या अधिसुचोवणेविशीं खुपश्या संस्थांनी प्रस्न उपस्थीत करपाबरोबरूच दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त दुरूस्ती करपाची मागणी केल्या. अशेंय लक्षांत हाडलां की सद्याच्या दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेवतीन अंमलबजावणी यंत्रणां दुबळी आशिल्ल्यान उल्लंघनाची प्रकरणां सामकीं सहजतायेन घडून येतात.

# ५. कार्यकक्षा १ : समितीच्यो शिफारसी

समितीन फुडल्या चार पर्यायांचेर खोलायेन विचार केल्लो आसा.

- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ ची अंमलबाजवणी सुरूच दवरची.
- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त आयिल्ल्यो सुचोवण्यो आनी हरकतींचो आसपाव करून पुर्नरचित मसुदो जाहीर करचो.
- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करप आनी उत्तम दर्यादिग वेवस्थापनाखातीर दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त कांय सुचयल्ल्यो सुदारणा करच्यो.
- दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करून दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ आनी दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ तल्या ठळक वैशिश्ट्यांक एकठांय करून नवी अधिसुचोवणी जाहीर करप.

तरेकवार पर्यायाचेर खोलायेन विचारविमर्श केल्या उपरांत समितीन तारीक २७ जून २००९ च्या सभेंत एकमतान तिसऱ्या पर्यायाची शिफारस म्हूण निवड केली.

कार्यकक्षा १ बाबतीन शिफारस : दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करप आनी बऱ्या दर्यादिग वेवस्थापनाखातीर दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त कांय सुचयल्ल्यो सुदारणा करच्यो.

# ६. कार्यकक्षा २ : एकवटीत दर्यादिग वाठार वेवस्थापनापासत धोरण तशेंच कायदेशीर चौकटीविशीं सुचोवण्यो

समितीक अशें स्पश्टपणान दिसता की आयज भारताची दर्यादिग दोन वाटांनी असुरक्षीत जाल्या. एका वाटेन, दर्यादिगांचेर उद्येगीक आनी नगरविकासांचो वाडटो दबाव आसा; आनी दुसरे वाटेन, वातावरण बदलांक लागून तयार जावपी चक्रीवादळां, महाकाय लाटांचे तडाखे आनी हालींच्या काळांत दर्यादिग पातळेंत जावपी वाड हांचो धोको आसा. हातूंत दर्यादिग आनी ताचेर रावपी लोकांच्या राखणेपासत सदांच दक्ष रावपाची सामकी गरज आसा. तशेंच, दर्यादिगो म्हळ्यार नुस्तेकार समाजाचें अधिवास आसा. हो समाजसुध्दा दोट्ट्या संकश्टांत आसा. एका वाटेन दर्या पर्यावरणाचें संवर्धन आनी दुसरे वाटेन विकासाचो अमानवी सुळसुळाट. दर्यादिगांचें वेवस्थापन करपाखातीर फुडारांत आंखपांत येवपी धोरणांमदीं हीं संकटां पयस करून एका नव्या विचारांचो स्विकार जावपाक जाय जातूंत, संकटग्रस्त दर्या परिसंस्था आनी तातूंत रावपी जनसमुहांच्या उपजिवीकेची राखण अशा दोनूय उद्दिश्टांक एकवटीन साध्य करूं येता.

एका वाटेन दर्या संरक्षण उद्यान वा रानवटी जुव्यांपासत ह्याच जनसमुहांक तांच्या राबित्या वस्तीसुवातेकडल्यान कुशीक उडयतात. दुसरे वाटेन मोठे विकास प्रकल्प तांकां आपल्या जमनीवेल्यान विस्थापीत करून तांची उपजिवीका हिसकावन घेवपाचें संकट उबें करता. आयज तांच्यो जमनी पर्यटन आनी उच्चभ्रू घरबांदणी प्रकल्पांकडल्यान विकत घेतात.

हे समितीन केल्ल्या चर्चाविमर्शांत अशें लक्षांत आयलां की दर्यादिग वाठाराशी संबंदीत खुपशे प्रस्न आसात जांचेकडे लक्ष दिवप गरजेचें आसा. समितीक मेळिल्लो मर्यादीत काळ मतींत घेवन समितीन अशा प्रश्नांक ह्या रिपोर्टांत अधोरेखीत केल्या, जेणेंकरून उपरांत तेबाबतीन पाठपुरावो करप शक्य जावं येता. हे समितीन अशें सुचयलां की शासनान फुडाकार घेवन कांय परिसंवाद घेवन दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त कांय फावो ते बदल करचे.

# ७. भविश्यकालीन कार्यावळ

समितीन सकयले कांय मुद्दे येणाऱ्या काळांत घेवपाखातीर अधोरेखीत केल्यात.

७.१ दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतले उल्लंघनाच्या कारवायांचेर लक्ष दवरपाखातीर उपग्रहाचेर आदारीत तंत्रगिन्यानाचो वापर करपी यंत्रणां, अदीक घटमूट अंमलबजावणी यंत्रणां आनी कायद्यात गरजेचे बदल हाडचे.

दयादेग वेवस्थाोन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त कागाळींची दखल घेवपी जाय तशी वेवस्था उपलब्ध ना. अधिसुचोवणेंत अशें नमूद केलां : पर्यावरण आनी वन मंत्रालय आनी राज्य सरकार वा केंद्रशासीत प्रदेशातलें प्रशासन आनी राज्य वा केंद्रशासीत प्रदेशाच्या पावंड्यावेली तत्सम यंत्रणां जी ह्या कारणाखातीर नेमल्या ती ह्या अधिसुचोवणेंतल्या तरतुदींचेर देखरेख आनी अंमलबजावणी करतली.

१९९३ वर्सा इंडियन कावन्सिल फॉर एनव्हायरोलीगल ॲक्शनान सन्मानीय सर्वोच्च न्यायालयांत दर्यादिग वाठार वेवस्थापनेबाबतीन एक याचिका दाखल केल्या. १९९६ वर्सा सर्वोच्च न्यायालयान पर्यावरण (संरक्षण) कायदो, १९८६ वरवीं दर्यादिग वाठार वेवस्थापन प्राधीकरण स्थापन करपाचे निर्देश दिल्या. त्याप्रमाण दिल्लीच्या पर्यावरण आनी वन मंत्रालय सचीव मुखेली आशिल्ल्या राष्ट्रीय दर्यादिग वाठार वेवस्थापन प्राधीकरणाची स्थापना केल्या. तेचप्रमाण राज्य/केंद्रशासीत प्रदेशांत वट्ट १३ दर्यादिग वाठार वेवस्थापन प्राधीकरणांची स्थापना केल्या.

ह्या प्राधिकरणांक पर्यावरण (संरक्षण) कायदो, १९८६ वरवीं आनी अधिसुचोवणेच्या उल्लंघनाचेर दंडात्मक कारवायेचे अधिकार दिल्यात. पर्यावरण (संरक्षण) कायदो, २९८६ चो कलम ५, १९ आनी १० वरवीं उल्लंघनाच्या कारवायांची चवकशी करप, कागाळ दाखल करप, तथ्य तपासप आनी उल्लंघन करपी वा प्रदूशण करपी युनीट बंद करून उडोवपपासून दंडात्मक कारवायांचे अधिकार दिल्यात. अधिसुचोवणेच्या उल्लंघनाचेर लक्ष दवरपाक अधिकार आजवेर वापरल्या आसले तरी तांकां आनीक कडक कारवायांपासत बदलप गरजेचें आसा.

सद्या दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ वरवीं येवपी प्रकल्पांची चिकित्सा करप तशेंच मंजुरी दिवप. (५ कोटी रूपयांपरस कमी गुंतवणूक आशिल्ले प्रकल्प राज्य स्तरांचेर मंजूर करतात) आनी तेपरस चड गुंतवणुकीचे कंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाकडे वतात. राज्य स्तरावेल्या प्राधीकरणान सुचयल्ल्या शिफारसींच्या आदारान केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालय निर्णय घेता. बंदर आनी जेटीसारक्या मोठ्या प्रकल्पांखातीर केंद्र सरकाराकडे दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ प्रमाण पर्यावरणीय आघात मुल्यमापन करून घेवपाखातीर वचचें पडटा. ही प्रक्रिया आनीक घटमूट करपाची गरज आसा.

हेपासत समिती मुखावेल्यो कृतीयेवजण्यो सुचोवंक सोदता :

७.१.१. उपग्रहाचो आनी म्हायिती तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून दर्यादिगांचे नकाशे तयार करप आनी प्रत्यक्ष उल्लंघनाच्या घडणुकांचेर नदर दवरप. अशी उपाय येवजण सन्माननीय मुंबय उच्च न्यायालयान दिल्ल्या आदेशावरवीं गोंय सरकारान पुराय दर्यादिगांचे नकाशे तयार करून घेतले. समिती हेबाबतीन अशें सुचयता की केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान पुराय देशाच्या दर्यादिगांचे नकाशे करून तातूंत घडपी बदलांची बेगोबेग नोंद घेवपी तंत्रगिन्यान विकसीत करप हेपासत राष्ट्रीय पावंड्याचेर कार्यावळ हातांत घेवप.

गोवा : उल्लंघनांचेर कारवाय

१९९८ वर्सा गोवा फावंडेशन नांवाच्या गोंय राज्यातल्या पर्यावरणीय स्वंयसेवी संस्थेन राज्यातल्या दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ बाबतीन जावपी उल्लंघनासंबंदी एक याचिका (क्र.४२२/१९९८/क्र.९९/१९९९) दाखल केली. अधिसुचोवणेंतल्या वाठार-तीन प्रमाण निवासी आनी दर्यादिगेर रावपी गांवगिऱ्या समुहांच्या उपजिविकेच्या उपेगांतल्या वाठारांत बांदकामांच्या कारवायांबाबत ही याचिका केल्ली.

याचिका करप्यांनी असो युक्तीवाद केलो की सन्माननीय मुंबय उच्च न्यायालयान दिल्ल्या निर्देशाप्रमाण गोंय राज्य सरकारान मेसर्स रिमोट सेंसिग इन्स्टीट्यूट ह्या हैदराबांदांतल्या कंपनीचेर १९९१ वर्सा ते २००५ मजगतची उपग्रहावेल्यान म्हायिती एकठांय करून तिचें तत्कालीन विश्लेशण करून अहवाल सादर करपाची जबाबदारी आसली. एकठांय जाल्ल्या म्हायितींत अशें दिसून आयलें की १९९१ ते २००५ मेरेन बांदकामांत वाड जाल्या. ताच्या उपरांत डि.जि.पी.ए.स वतीन कलंगूट, कांदोळी आनी बागा ह्या गांवांचें सविस्तर सर्वेक्षण केलें.

ह्या सर्वेक्षणांतल्यान गोंय राज्य सरकाराच्या अशें मतींत आयलें की १९९१ वर्सा उपरांत तशेंच भरतीसावन जमनीच्या वाटेन २०० ते ५०० मीटर मजगतीं ४५५३ बांदकामां उबीं जाल्या तीं सरळ सरळ दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेचें उल्लंघन करपी आसात. हाचेभायर भरती/सुकतेन प्रभावीत न्हंय वाठाराच्या देगेर १०० मीटराच्या भितर आनीक २२७२ बांदकामां अशे तरेन तरतुदींचें उल्लंघन करून उबीं जाल्यांत. सन्माननीय मुंबय उच्च न्यायालयान ह्या उल्लंघन करप्यांचेर सामकी खर कारवाय करपाचे आदेश दिल्या. जून २००९ त, गोंय राज्य सरकारान केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाकडे सदर बांदकामां मान्यताप्राप्त करून घेवपाखातीर परवानगी मागली. हाचो अर्थ सरळसरळ अनधिकृत बांदकामां अधिकृत करून घेत फुडारांतूय दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेचें उल्लंघन करपाक उर्बा दिवपासारकें जाता. समितीक अशें दिसता की केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान हेबाबतीन सामकी सावध भुमिका घेवन फुडारांत उल्लंघनाचे प्रकार खंयच्याय दर्यादिगांचेर घडचे ना हें पळोवंचें.

७.१.२. दर्यादिगांचेर कामांक मंजुरी दिवपाबाबतीन वेगवेगळ्या तरतुदींचो नीट विचार करूनूच फावो तो निर्णय घेवपाची गरज आसा. पर्यावरणाचें हीत सांबाळपाखातीर भरपूर कश्ट, चिकाटी आनी खर भुमिका घेवंची लागतली. खुबदां अशें लक्षांत येता की राज्य शासनातल्या सचिवांच्या अखत्यारीखाला राज्य पावंड्यावेली यंत्रणां दर्यादिगेर उबे रावपी प्रकल्पांक मंजुरी मेळोवन घेवपाखातीर प्रयत्नशील असतात आनी सन्माननीय सर्वोच्च न्यायालयान तांची जेखातीर नेमणूक केल्या त्या प्रतिबंधनात्मक कामांमदीं तांचो खुबूच कमी

वेळ वता. म्हुणून ह्या राज्यपावंड्यावेल्या यंत्रणेची कामांची पध्दत बदलपाची गरज आसा आनी दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ तशेंच पर्यावरणीय आघात मुल्यमापनाकडेन संबंदीत प्रकल्प मंजुरीचीं प्रकरणां राज्य पर्यावरण मुल्यमापन समिती वा पर्यावरण विभागावतीन हाताळप जावंक शकता. राज्यातल्या दर्यादेग नियमन वाठार प्राधीकरणांची भुमिका प्रतिबंधनात्मक नियंत्रण दवरपाखातीरूच आसूंक जाय. जबाबदाऱ्यांच्या अशा विभागणींक लागून निर्णय प्रक्रिया आनी कामांची अंमलबजावणी अदीक प्रभावी जावंक पावतली. हाचो अर्थ असो की दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेकडे संबंदीत प्रकल्पांचें फावोशें मुल्यांकन करपी तज्ञांचो आसपाव राज्य पर्यावरण मुल्यमापन समितींत आसपाक जाय.

७.१.३. राज्य दर्यादेग वाठार वेवस्थापन क्षमतांच्या खासा करून म्हायितीचे स्त्रोत अदीक घटमूक करपाची गरज आसा. दर्यादेग नेमाखाला एक मुखेल आडखळ अशी आसा की निर्णय प्रक्रिया सुरळीत चलपाखा-तीर गरजेच्या शास्त्रशुध्द म्हायितीचो उणाव. हेबाबतीन काम पळोवपी केंद्र आनी राज्य पावंड्यावेल्या शास्त्रीय म्हायिती संकलन तशेंच विश्लेशण संस्थेचो उणाव आसा. हाचेकडेन बेगोबेग लक्ष दिवप गरजेचें आसा.

७.१.४. दर्यादेग नियमन वाठार आनी पर्यावरणीय आघात मुल्यमापनाबाबतीन आशिल्ल्या मंजुरीचीं प्रकरणां फकत पर्यावरण आनी वन मंत्रालयूच जहीर करता. राज्यपावंड्यावेलें प्राधीकरण वा प्रशासन मात हें करतना दिसना. समितीन अशी नोंद घेतल्या की हालींच केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान तरेकवार राज्यपावंड्यावेल्या यंत्रणांक पत्र धाडून मंजुरीच्या प्रकरणांतली सगळी म्हायती जाहीर करपाक सांगल्या. समितीन परत एकदां हेबाबतीन अशें सुचयता की हेबाबतीतले निर्देश बेगोबेग अंमलांत हाडचे.

७.१.५. पर्यावरण (संरक्षण) कायदो १९८६ त कंम्प्लायन्स प्रक्रिया प्रभावी करपाचे नदरेन बदल करचे. सद्या, ह्या कायद्याच्या कलम २१ आनी २२ वरवीं उल्लंघनाचें कृत्य अदखलपात्र आनी जामीनपात्र थरयलां. ताका लागून प्रतिबंधात्मक कारवायेचो प्रभाव कमी जाता. उल्लंघन करप्याक अर्थिक शिक्षेची तरतूद चडान चड फकत एक लाख रूपया आसा, जी रक्कम सामकी थोडी आशिल्ल्यान उल्लंघन करप्यांक जरब बसना. समिती हेबाबतीन अशें सुचयतां की कायद्यातल्या ह्या तरतुदीचें मुल्यांकन करून प्रतिबंधनात्मक उपाय येवजणांच्या नदरेन कायद्यान फावो ते बदल हाडचे.

७.२ दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त दुरूस्ती करून नुस्तेकार कुटुंबाच्या अधिवासांक आनी उपजिविकेक राखण मेळोवन दिवप.

७.२.१. दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-तीन मदल्या नुस्तेकार समाजाच्या घरासंबंदान शिफारस : अधिसुचोवणेंतले वाठार - तीन मदल्या नुस्तेकार समाजाचो आसपाव आसा. राबित्या जागांविशीं व्याख्या केल्या. वाठार-तीनावरवीं भरतीरेशेसावन जमनीच्या दिकेन २०० मीटरमेरेन ना-विकास वाठार (नो डेव्हलपमेंट झोन) थारायिल्लो आसा. ह्या वाठारांत खंयच्याय नवीन बांदकामांक परवानगी नासून फकत अस्तित्वांत आशिल्ल्या अधिकृत इमारतींची दुरूस्ती करपाचीच परवानगी आसा. ती करतना लेगीत सद्याच्या चटईक्षेत्र (कार्पेट एरिया) निर्देशांकापरस चड जातलो अशा दुरूस्तीक मान्यता ना. ह्या वाठारांत शेती, फळबाग, उद्यान, गोरवां चरप, खेळामळ आनी जंगलांची लागवड करपाक परवानगी आसा. ताच्या मुखावेल्या २०० ते ५०० मीटरमेरेनच्या वाठारांत नुस्तेकारांचे गांव वा गांवठण आसल्यार बांदकामांक

वा पुर्नबांदकामांक परवानगी आसा. ह्या वाठारांत थळाव्या समुहांखातीर पावसासावन वाटावपाक खापें, भौशीक शौचालयां, उदकापुरवण, शाळा, दवाखाने आदी. बांदकामांक परवानगी आसा.

रावतल्या घरांच्या विकासकामांवेल्या प्रतिबंधाचो प्रस्न १९९१ वर्सा कार्पेट एरिया निर्देशांकावरवीं (एक आनी ताचे वयर दोन माळो चडोवपाखातीर वा ९ मीटर उंचीमेरेन बांदकामाची मर्यादा) लक्षांत घेवन नुस्तेकार समाजाच्या कांय संघटनांनी नुस्तेकारांच्या घरांच्या विकासाबद्दल प्रस्न उपस्थित केल्या. तांच्या कुटुंबाच्या वाडट्या संख्येप्रमाण कार्पेट एरिया निर्देशांक वाडोवन दिवपाची मागणी ते करीत आसा. ही मागणी बरोबर आसा अशें दिसलें तरी एक गजाल लक्षांत दवरपाक जाय की उपरांत अशा किंमती जागांचो उपेग नुस्तेकारांनी सोताखातीरूच करपाक जाय. समिती अशी शिफारस करता की सरकारान हेबाबतीन खोलायेन विचार करून वाठार-तीनांत कार्पेट एरिया निर्देशांक वाडोवन दिवंचो, मात जागेची मालकी आनी वापर हाचेर निर्बंध तयार करचो.

७.२.२. उपजिवीकेकडेन संबंदीत कामां आसपावन घेवपाबाबत समितीची शिफारस

नुस्तेकारांच्या उपजिवीकेचें मुखेल साधन म्हळ्यार नुस्तेमारी. मात दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंत हेविशीं घुस्पागोंदळ चड आसा. ताचो परिणाम म्हण खूब फावटीं नुस्तेकार समाज तांच्या जिणेंतल्या म्हत्वाच्या गरजांकडे ह्या अधिसुचोवणेंत दुर्लक्ष जाल्ल्याची खंत उक्तायता. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त हेबद्दल तरतूद केल्या जेणेंकरून दर्यादिगांचेर रावपी नुस्तेकारांक नुस्तेमारी करप आनी तेसारकीं कामां करपाक बंधन आसचें ना. सद्या दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त नुस्तेकारांच्या सदच्या जिणेंतलीं वेगवेगळीं कामां उदा. नुस्तें सुकोवप, पावणेची सुवात, जाळीं दुरूस्त करपाची जागा आदी नुस्तेमारी वेवसायाकडेन संबंदीत कामांचो घुस्पागोंदळ नासतना उल्लेख केल्लो दिसना. ह्या गजालींचोय नुस्तेकार समाजाचे जिणेचेर विपरीत परिणाम जाता.

समिती अशी शिफारस करता की ह्या अधिसुचोवणेंत नुस्तेकारांची परवानगी फावो ते वेगवेगळ्या कामांची वळेरी हांचो आसपाव करून तांकां वाठार-दोन तशेंच वाठार-तीनांत करपाक मेकळीक आसची. मात ही वळेरी सामकी जतनायेन तयार करची जेणें करून तांचो कोणूय गैरवापर करचो ना. उदा. नुस्त्याचेर प्रक्रिया करपाच्या कामाचो उल्लेख हे वळेरेंत आसचो मात ह्या कामाची व्याप्ती जर मोठ्या प्रमाणान आसली तर ताका लागून दर्यादिगांचेर प्रदूशण जावपाक शकता तशेंच ताची मालकी अ-नुस्तेकार समाजाकडे आसूं शकता.

दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-तीन (० ते २०० मीटर) मदीं नुस्तेकारांक घरां बांदपाची मेकळीक आसा. पूण पर्यटनासारकी अर्थिक गजाल प्रतिबंदीत आसा. नुस्तेमारांच्या मालकी जागेंत पर्यनाकडे संबंदीत गजालींचो वाठार-तीनांत आसपाव करपाची मागणी नेमान जाता. ही मागणी जरी रूजू दिसली तरी कळंतरान पर्यटनाच्या वाडट्या परिणामांचेर नियमन करप कठीण जावपाक शकता. समिती अशें सुचोवंक सोदता की जर ही मागणी अधिसुचोवणेंत केली तर पुराय जाणविकायेन तिचो आसपाव करचो.

७.२.३. नुस्तेकार समाजाच्या हक्कांविशीं कायदेशीर तरतुदींबाबत शिफारशी

समितीन नुस्तेंमाऱ्यांकडल्यान तांच्या विकासप्रकल्पांक लागून कशे पध्दतीन विस्थापन जाता, तांची उपजिवीका सोंपता हेविशीं कागाळ आयकल्या. उदा. मुंबयतल्या वर्सोवा, आंध्र प्रदेशांतल्या मच्छलीपट्टम आनी गुजरातांतल्या मुंदरा अशा दर्यादेगांवेल्या नुस्तेकारांच्या जाग्यांचेर राबितो इमारतींसावन ते बंदर उबारपामेरेन तरेकवार मोठ्या विकासप्रकल्पांनी कशे तरेन अतिक्रमण केलां. नुस्तेकारांनी मोठ-मोठ्यो कंपनी आनी बिल्डरांच्या विरोधांत चलयल्ल्या लढ्याची काणीच समितीमुखार मांडली.

समिती, प्राध्यापक एम.एस. स्वामिनाथन हाणीं दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणे संबंदान मुल्यमापन करपी संसदीय समितीमुखार मांडिल्ल्या शिफारशीक मान्यता दिवपाकसोदता की पारंपारीक जंगलवासी कायदो, २००६ प्रमाण पारंपारीक नुस्तेकार समाजाखातीर केंद्र पावंड्याचेर कायदो करचो.

७.३ मुंबयतले विकास आनी पुर्नविकासाकडे संबंदीत प्रस्नांसंबंदान थळाव्या पावंड्यावेली दुरूस्ती सुचोवप दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-दोनांत अस्तित्वांत आशिल्ल्या रस्त्याकडेनच्या इमारतींक परवानगी आसा. ज्यो इमारती १९ फेब्रुवारी १९९१ ह्या तारकेपयलींसावन अस्तित्वांत आसात, तांकांच अधिकृत मानलां. ही तरतूद ५०० मीटराच्या मर्यादेभितरल्या विकासकामांचेर नियमन करपाखातीर सामकी म्हत्वाची आसा. पूण तिचो अर्थ कायम वेगवेगळो लायिल्ल्यान तिची अंमलबजावणी कठीण जाल्या. ताका लागून न्यायालयांत असंख्य प्रमाणान खटले दाखल जाल्यात. कितलेशाच जाणांचे अजून निकाल लागपाचे रल्यात. मुंबयत हो प्रस्न तेंगशेर पावला, कारण मुंबयच्या दर्यादेगांचेर आशिल्ल्या जमनींचे दर मळबाक तेंकल्यात आनी अशा जमनींचेर झोपडपट्ट्यांनी मोठे संख्येन लोक रावतात.

समितीन, झोपडपट्ट्यांच्या तशेंच म्होडपाक पाविल्ल्या इमारतींचे मुंबय महानगरपालिका वाठारांत पुर्नवसन करपापासत बांदकाम वेवसायीक संघटना, स्वंयसेवी संस्था आनी राज्य सरकाराच्या अधिकाऱ्यांबरोबर चर्चा केली. चर्चेवेळार अशें लक्षांत हाडून दिलें की लोक ५०० मीटराच्या भितर सामकें दर्याच्या लागीं रावतात. अशें म्हणटात की मुंबयतल्या दर्यादेगांचेर ५०० मीटर वाठारांत विकास वा पुर्नविकासाचो प्रस्न कार्पेट एरिया निर्देशकांकडे संबंदीत आसा. जो दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेप्रमाण २ फेब्रुवारी १९९१ ह्या दिसा अस्तित्वांत आशिल्लो तितलोच आसपाक जाय. हेप्रमाण पळयलें जाल्यार बांदकाम वेवसायिकांक पुर्नबांदणी प्रकल्पांत कार्पेट एरिया निर्देशांकाचो फायदो मेळना. स्वंयसेवी संस्थांनी १९४० वर्सा आदल्या इमारतींचो प्रस्न मुखार हाडला. ज्यो सामक्यो वायट परिस्थितींत उब्यो आसून थंयसरल्या नागरीकांची भलायकी धोक्यांत आसा.

समितीक अशी म्हायती दिल्या की कार्पेट एरिया निर्देशांकाचो प्रस्न सन्माननीय मुंबय उच्च न्यायालयांत चर्चेक आयला. शारांतल्या एका बांदकाम वेवसायीकान दाखल केल्ले याचिकेंत (क्रमांक १०१९ / १९९९) सन्माननीय उच्च न्यायालयान अस्तित्वांत आशिल्ल्या कार्पेट एरिया निर्देशांक (एक्झिस्टींग फ्लोर स्पेस इंडेक्स) ह्या शब्दाचो अर्थ दर्यादेग वेवस्थापन अधिसुचोवणेंत १९ फेब्रुवारी १९९१ च्या तारकेक अस्तित्वांत आशिल्ल्या कार्पेट एरिया निर्देशांक असोच मान्य केला. ह्या स्पश्टीकरणाक धरून सद्याच्या कार्पेट एरिया निर्देशांक ग्रामीण भागांत १.०० आनी मुंबयच्या शारी भागांत १.३३ असो आसा.

समितीक अशीय म्हायती दिल्या की मंत्रालयान मे २००० त एका सिमतीची स्थापना केल्या जी दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेप्रमाण घोशीत वाठारांत आशिल्ल्यो झोपडपट्ट्यो, सामक्यो वायट परिस्थितींत उब्या आशिल्ल्या इमारतींच्या प्रस्नांचो अभ्यास करीत आसा. आदले केंद्रीय शार विकास विभाग सचीव श्री. द. म. सुखटनकार हांच्या अध्यक्षतेखाला स्थापणूक जाल्ले हे समितीन अशें मत उक्तायलां की कार्पेट वाठार निर्देशाकांत वाड करची. हे सिमतीन अशी शिफारस केल्या की दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त नमूद केल्ल्या वाठाराभायल्या वाठाराक लागूं आशिल्ल्या कार्पेट एरिया निर्देशांक जो विकास नियंत्रण नेमावळीप्रमाण (डेव्हलपमेंट कंट्रोल रूम) थारता तोच अधिसुचोवणेंतल्या नमूद वाठाराक लागूं करचो. मंत्रालयान सन्माननीय मुंबय उच्च न्यायालयाचे निर्देश प्रमाण मानून सुखटनकार समितीच्या अहवालांतल्यो शिफारशी स्विकारूंक ना.

समितीन शारांतल्या विकासक आनी प्रशासकांक कार्पेट एरिया निर्देशांकांत बदल करपाक विचारलें तेन्ना बांदकाम वेवसायिकांनी प्रकल्प अर्थिक नदरेन परवडचो म्हण फकत चड न्हय तर अमर्यादीत कार्पेट एरिया निर्देशांकाची मागणी केली. ताणीं अशें मत मांडलें की आयज दर्यादेगांचेर सामक्या वायट अवस्थेंत जगप्यांक थंयच फुकट घरां बांदून दिवंचीं आनी हें शक्य जावंचें म्हण कांय घरां बांदून तीं विकून खर्च वसूल करचो.

समितीन नुस्तेमार समाजाच्या प्रतिनिधींकडल्यान अशेंय आयकलां की झोपडपट्टी पुर्नविकास येवजण्यांचो तांकां कांयच फायदो ना. ताणीं मुखार अशेंय स्पश्टीकरण दिलां की झोपडपट्टी वा वायट अवस्थेंतल्या इमारतींचो पुर्नविकास करतना थळाव्या लोकांक प्राधान्य दिनांत. पुर्नविकासाच्या नांवान ताब्यांत घेतिल्ले वाठार, खासा करून दर्याचे वाटेन आशिल्लो भाग जो ह्या थळाव्या लोकांचे मालकीचो आसता तो ताब्यांत घेवन भरपूर दरांत विकतात. मात, नुस्तेकारांखातीर राखून दवरलेलो भाग सामको कमी आसता. ताणीं समितीकडे अशी मागणी केल्या की तांच्या जमनीवेल्या झोपडपट्टी पुर्नविकासाचे सगळे प्रकल्प थांबोवपाचे आनी फकत नुस्तेकारांची जमनीवेली मालकी राखून दवरपी प्रकल्प मंजूर करचे. समिती मुंबय शार आनी तातूंत अस्तित्वांत आशिल्ल्या मालमत्तेच्या पुर्नविकासाचे गरजेक स्पेशल केस म्हूण नमूद करपाक सोदता.

मात, पुर्नविकासाचें हें कार्य दर्यादेगांच्या संरक्षणाच्या नेमांचो बळी दिनासतना कशें साध्य करपाक मेळटलें हेविशीं स्पश्टता ना. हेर भागांतल्या दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी वाठार-दोन प्मदीं पुर्नविकासाच्या प्रस्नांबाबत समिती अशें सुचयतां की सरकारान ह्या प्रस्नांचो गंभीरतायेन विचार करचो, घडये कांय विशीश्ट भागंत विशीश्ट प्रकारांच्या इमारतींच्या पुर्नविकासाच्या परवानगीचेर प्रतिबंध दवरचो.
तेचप्रमाण, राज्य शासनान दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेमदल्या वाठारांत खाजगी विकास करप्यांक इमारत बांदपाचे प्रकल्प राबोवंक दिवपी धोरणाचो पुर्नविचार करप सामकें गरजेचें आसा. अशा प्रकल्पांभितर सरकारी गुंतवणुकीचो निश्चीत विचार जावंचो जेणें करून अशा पुर्नविकासांत त्या सुवातेवेल्या कुटुंबाची गरज पुराय करपाबरोबरूच पर्यावरणीय राखणेचीय राखणूक जावपाक शकता.

७.४ दर्यादेगेर उब्या रावपी बंदराचो वाडटो आंकडो आनी ताका लागून दर्यादेगांचेर जावपी परिणाम हेबाबतीन वेवस्थापन करपाखातीर नेमांची शिफारस

समितीच्या अशें लक्षांत आयलां की सद्या देशांतल्या दर्यादेगांमदीं व्हडा प्रमाणांत बदल जायत आसात तशेंच ताका असंख्य बंदर आनी जेट्टींची निर्मिती कारणीभूत आसा. बंदर उबारणी प्रकल्पामदीं व्हडा प्रमाणान दर्यांत ड्रेजींग करप, दर्यादग बांदून काडप, वसाडींचे मार्ग बदलप तशेंच दर्यांत भराव उडोवप चलता. समस्या अशी आसा की ह्या प्रकल्पांचो एकवटीत परिणाम दर्यादेगांचेर कितें जाता हेविशीं सामकी तुटक म्हायती आसता. जहाजउद्येग मंत्रालयांतल्या अधिकाऱ्यांनी अशें स्पश्टीकरण दिलां की बंदरांची मालकी, तांचें आकारमान हेप्रमाण तांकां परवानगी दिल्ल्यान सगळ्याच बंदर निर्मिती प्रकल्पांचेर नियंत्रण दवरप कठीण आसा. केंद्रीय जहाजउद्येग मंत्रालयावतीन भौशीक वाठारांतल्या बंदराची निर्मिती जायत आसून धाकट्या बंदरांक राज्य सरकाराकडल्यान परवानगी मेळटा. तेचबरोबर खाजगी विकासकामांवतीनूय कांय बंदरांचो विकास करतात. तज्ञांचें हाचेर मात एकमत आसा की बंदरांक लागून देगेच्या दर्यादेगांचेर खासा करून रेवेंच्या चौपाट्यांचेर परिणाम जाता. ह्यान आदीं बऱ्याच बंदरांक लागून व्हडा प्रमाणान दर्यादेगांच्या रचनेंत बदल जाल्यात. ते आमकां एन्नोर, पुडेचेरी, अलिबाग, दिघा आनी दहेज हांगा पळोवंक मेळटा.

तेचप्रमाण अशेंय लक्षांत आयलां की खाणकाम प्रकल्पांचोय दर्यादेगांचेर विपरीत परिणाम जायत आसा. तेचबरोबर देगांची राखण करपापासत बांदपांत येवपी संरक्षक बांदकाम रचनेचोय दर्यादेगांचेर वायटच परिणाम जायत आसा.

दर्याचो घुस्मटमार

दर्यादेगांची धूप ही पुडूचेरीतली एक व्हड समस्या आसा. मात थंयसल्ल्यो रेवेंट्यो काय एका रातीभितर गायब जावंक नात. कार्यकर्ते सांगता की ही समस्या १९८९ वर्सा सावन निर्माण जावपाक सुरवात जाली ज्यावेळार हांगसरल्या दक्षिण टोकाचेर बंदर बांदलें. वसाडींचो प्रवाह आडावपाखातीर दोन ब्रेकवॉटर बांदले जाका लागून दर्यादेगांवेल्या वसाडींचें नैसर्गिक व्हावप आनी रेवेंची दक्षिणोत्तर हालचाल खंडीत जाली.

देशाच्या पूर्व दर्यादेगांलागीं दर्या वसाडींचें वहन चड आसा, जाका लागून ६ दशलक्ष क्युबीक मीटर रेंव दक्षिणोत्तर दिकेन सरकत आसा. पुडूचेरीच्या दक्षिणेंतल्या ब्रेकवॉटराक लागून रेवेंचें दक्षिणेकडल्यान उत्तरेकडे सरकप बंद जालां आनी उत्तरेकडल्या ब्रेकवॉटरा लागींची रेवेंची चौपाटीच नश्ट जाल्या.

नवी दिल्ली हांगसरल्या सल्लागार तज्ञ इंजिनिअरींग कंपनीक ही समस्या उप्रासतली हाचो पयलींच अदमास आसलो. ताणीं रेवेंक कुशीकच्यान व्हावोन वचपाखातीर बायपास यंत्रणां बंदराच्या उबारणी वेळार बांदलेली. बंदरांत जमा जावपी रेंव उपसून कुशीक उडोवप तशेंच दर्यातली धूप थांबोवपाची अशी तांची येवजण आसली. सेंट्रल वॉटर अँड पॉवर रिसर्च स्टेशन (सी.डब्लु.पी.आर.एस) चे मुखेल संशोधन अधिकारी, श्री. एम. डी. कुदळे हांच्या मतान, रेवेंच्या कुशीन सरकोवपाखातीर जी बायपास यंत्रणां उबारली ती २००० ते २००१ वर्सा इतल्या कमी काळापुरतीच वापरल्या आनी तितल्या पुरती रेवेंची चौपाटी दिसली. पूण उपरांत २००२ वर्सा ही यंत्रणां बंद केल्ल्यान चौपाट्या परत ना जावपाक सुरवात जाल्या.

रेवेंचो नाश

२००२ वर्सा मेरेन उत्तर पुडूचेरीच्या दर्यादेगांवेली सगळी रेंव सोंपली. ताका लागून दर्यादेगांवेल्या इमारतींचो पाया खचूंक लागलो इतलें उदक भितर आयलें. २००२-०३ वर्सा राज्य सरकारान लागीं लागीं सात किलोमीटर लांब फातरांची वणट दर्यादेगेर बांदपाचें थरयलें. बांदकामाचेर ४० कोटी रूपया खर्च जाले. ताका लागून पुडूचेरीच्या देगेची तात्पुरती राखण जाली तरी दर्यादेगांची धूप जावपाची ही समस्या तामिळनाडूच्या उत्तरेकडल्या गांवाच्या देगेन सरकली.

२००६ वर्सा पुडूचेरीच्या उत्तरेकडे २०० मीटर चौपाटी नश्ट जाली. भितर आयिल्ल्या दर्यान देगांवेल्या घरां उध्वस्त करून एका भुरग्याचो जीव घेतलो. तामीळनाडू सरकाराक ह्या गांवाच्या रक्षणाखातीर राखणे वणट बांदप बादीकारक जालें.

मजगतीं, २००२ वर्सा इंडियन इन्स्टीट्यूट ऑफ टॅक्नॉलॉजी (एन.आय.आय.टी) हाणीं पुडूचेरी लागीं प्रयोगीक तत्वाचेर ग्रायन्स बांदून पळयात अशें सुचयलें. इंडियन नॅशनल ट्रस्ट फॉर आर्ट अँड कल्चरल हेरिटेज आनी सिटिजन्स फोरम फॉर पुडूचेरी ह्या संस्थांनी अशें करपाक आक्षेप घेतलो. तांचें म्हणणें आशिल्लें की ग्रायन्स बांदून लेगीत ब्रेकवॉटर प्रमाणूच परिस्थिती निर्माण जातली आनी देगांची धूप जावपाची समस्या बांदकामाच्या उत्तरेकडे सरकतली. २००२ वर्सा केंद्रशासीत प्रदेशाच्या विधीमंडळांत हो प्रस्न उपस्थित जालो. सरकारान त्यावेळार आश्वासन दिलें की हाचेर हेरांचेंय मार्गदर्शन घेतले.

जानेवारी २००८ त पॉडीकॅन तशेंच कोस्टल ॲक्शन नेटवर्क नांवाच्या आनीक एका संस्थेन सन्माननीय चेन्नय उच्च न्यायालयांत एक जनहीत याचिका दाखल करून न्यायालयाक देगांचेर चलिल्लें बांदकाम थांबोवपाची विनाणी केली. एका म्हयन्या उपरांत न्यायालयान भौशीक बांदकाम विभागाक निर्देश दिले की ताणीं हेपासत पर्यावरणीय मंजुरी प्राप्त करची. फेब्रुवारी २००८ त विभागान दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी वरवीं मंजुरीखातीर अर्ज केलो. मजगती, जानेवारी २००९ त, तामीळनाडू सरकारान विल्लुपुरम जिल्ह्यांतल्या कोट्टपुप्पम ब्लॉकामदल्या दर्यादेगांची धूप जाल्लेखातीर चवकशी सुरू केली. हे चवकशेच्या अहवालांत अशें नमूद केलां की दर्यांत बांदिल्ल्या वणट/ग्रायन्सांक लागून दर्यातल्या रेवेंचें नैसर्गिक वहनाक बादा आयल्या ताका लागून जावपी देगांची धूप ही कोट्टकुप्पम ब्लॅक आनी पुडूचेरीच्या उत्तरेकडल्या विल्लुपुरमच्या वन्नूर तालुक्यांतल्या सगळ्या गावांक धोकादायक थारूंक शकता. ह्या अहवालांत फुडें अशेंय नमूद केलां की जर हें बांदकाम अशेंच चालू उरलें तर तामीळनाडूच्या दर्यादेगांचेर खासा करून विल्लपुरम जिल्ह्यांत दर्यादेगांची धूप जावपाची समस्या आनीकूय गंभीर जा-वपाक शकता. पुडेचेरी प्रशासनान केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाकडे मंजुरीखातीर सादर केल्लो प्रस्ताव प्रलंबित आसून तामीळनाडू सरकारान अजून कसलोच प्रस्ताव सादर करूंक ना.

सद्याच्या दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ आनी पर्यावरणीय आघात मुल्यमापन अधिसुचोवणेवरवीं बऱ्याच बंदराचे प्रकल्प नियमन केल्या. कार्गोची क्षमता आशिल्ल्या बंदरंक तरी ही मंजुरी गरजेचीच आसा. हाचो दुसरो अर्थ असो की अशीं बंदरां जी फकत गाळ उपसप वा उपशिल्ल्या गाळाची विल्हेवाट लावपाखातीर आसा तांकां ही मंजुरी गरजेची ना. पर्यावरणीय आघात मुल्यमापन अधिसुचोवणेंत मंजुरीची गरज ही बंदराच्या क्षमतेप्रमाण करपांत येवपी वर्गवारीचेर अवलंबून आसा – ज्या बंदरांचेर ५ दशलक्ष टनांपरस चड माल हाताळपाची क्षमता आसा तांकां केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाकडल्यान मंजुरी घेवंची पडटा. आनी हेरांक राज्य पर्यावरण मुल्यमापन प्राधिकरणाकडल्यान मंजुरी घेवंची पडटा. दर्यादग नियमन वाठार अधिसुचोवणी १९९१ वरवीं सगळ्याच बंदरांक केंद्र सरकाराकडल्यान मंजुरी घेवंची पडटा मात फकत भरतीरेशेसावन जमनीच्या दिकेन ५०० मीटर जमनीच्या वाठारापुरतोच हो संबंद आसता आनी दर्याच्या उदकाबाबत ही अधिसुचोवणी लागूं पडना.

समितीक अशें दिसता की ह्या पध्दतीचो विकास हो दयादेगांसाठी हिताचो ना, खासा करून रेवेंच्या चौपाट्यांक नश्ट जावपाचो कायम धोको आसून अशे बदल आपल्याक दिसूंक शकतात. केंद्र आनी राज्य सरकारांवतीन राबोवपांत येवपी बंदर उबाणी प्रकल्पांकडे पळयल्यार ताका लागून दर्यादेगांची धूप जावन केन्नाच भरून न येवपी लुकसाण आसा.

समिती हे बाबतीन मुखावेल्यो शिफारसी सुचयता –

७.४.१.सरकारान दर एका बंदर प्रकल्पाक लागून दर्यादेगांचेर कितें परिणाम जाता हाचो बेगोबेग अभ्यास करप. नवे प्रकल्प वा सद्याच्या बंदरांच्या विस्ताराचे प्रकल्प प्रलंबीत आसल्यार तांकां तात्पुरती स्थगीती दिवंची.

७.४.२. दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त दर्याकडल्या वाठारांचोय आसपाव करचो

कारण बंदरासारक्या प्रकल्पांक लागून दर्याचेर जावपी परिणाम आनी दर्या तशेंच जमनीमजगतच्या पर्यावरणाच्याय परिणामांची दखल घेवपाक मेळटली. दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त बंदराच्या ह्या कामांचें नियमन करपाचो यत्न केल्लो, जातूंत रस्ते येरादारीकडे संबंदीत गजालींचोय आसपाव करून एकवटीन बंदर वेवस्थापनाचो विचार मांडलेलो. हे सुचवणेचो आसपाव दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त करचो.

७.४.३ पर्यावरणीय आघात मुल्यमापन अधसिुचोवणेंतल्या ९ जानेवारी २००९ च्या दुरूस्तींत असो मुद्दो घालचो की बंदर विकासाच्या आधुनीकीकरण करपी वा विस्ताराचो प्रस्ताव कसलेंच प्रदूशण जावंचें ना वा कसलेच तरेन चड उदक वापरचे ना वा चड जमीन ताब्यांत घेवंचे ना जाल्यार ताका पर्यावरण मंजुरीसावन सवलत दिवंची. समिती अशें सुचयता की सदर दुरूस्ती सरकारान आपल्या परिक्षणाखाला गेल्या उपरांतूच करची, जेणें करून वयल्या शिफारचींचो तातूंत विचार जातलो.

७.५ दर्या म्हळ्यार जमनीवेली घाण स्वस्तात सोडून दिवपाचो पर्याय न्ही, ह्या तत्वाप्रमाण सांडउदकाच्या प्रक्रियेचे निकश अदीक कडक करपाबाबत समितीचें अशें स्पश्ट म्हणणें आसा की प्रदूशणाचो दर्यादेगांक व्हड धोको आसा. दर्यांत सांडउदक तशेंच मैला सोडिल्ल्यान दर्यांतल्या मत्स्यसंसाधनांच्या बऱ्याच जाग्यांचेर गंभीर परिणाम जाता, अशें सादरीकरण नुस्तेकार समाजान समितीमुखार मांडले. सांडउदक आनी मैला दर्यांत सोडपाविशींच्या दुबळ्या निकशांचो गैरफायदो घेयत कांय उद्येग दर्यादेगांचेरूच आपलें बस्तान बसयता. सांडउदक प्रक्रिया केंद्रासावन थेट दर्यांत पायपलायनींतल्यान सांडउदक तशेंच मैला प्रक्रिया करून दर्यांत वता काय ना हाचेर नियंत्रण राखप अशक्य आसा. तेचप्रमाण, चडशीं शारां आनी नगरपालिका ज्या दर्यादेगांचेर आसात तांचेकडल्यान प्रक्रिया न करता सांडउदक आनी मैला दर्यंत सोडपाचे प्रकार जातना दिश्टी पडटात. दर्या आनी देगो घनकयर उडोवपाचेय सोयीचे वाठार जाल्ल्याचें चित्र दिश्टी पडटा.

दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त नमूद वाठारांत शार वा नगर आनी हेर मनवी वस्ती, कारखाने हाणीं मैला सोडप प्रतिबंधीत आसा. विशीश्ट थारावन घेतिल्ल्या काळांत ताणीं अशे तरेन घाण दर्यांत सोडपाचे प्रकार कायमचे थांबोवपाक जाय आनी हो कालावधी तीन वर्सांपरस चड आसूंक जायना. हे तरतुदीक पुरायपणान धाब्याचेर बसोवन दर्यांत घाण सोडपाचे प्रकार सगळ्याच शारांनी जातना दिसतात. उदकासकयल्यान पायपलायनीवरवीं मैला दर्यांत सोडपाचो प्रकार दर्या जैवविविधतेच्या नदरेन सामको धोकादायक आसा.

समिती सामकी जाणविकायेन अशी शिफारस करता की दर्यांतलें प्रदूशण आडावपाखातीर कृती करप गरजेचें आसा. दर्यांत सांडउदक सोडपाविशींचे निकश सुदारपाक जाय अशें समिती सुचयता. दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ प्रमाण उदकासकयल्यान पायपांतल्यान सांडउदक आनी मैला दर्यांत सोडपाक परवानगी दिवंची न्हय.

७.६ पुराय चर्चाविमर्श करून अंदमान तशेंच निकोबार आनी लक्षद्विप जुव्यांखातीर नवीन वेवस्थापना यंत्रणां लागूं करप

समितीच्या अशें लक्षांत आयलें की दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त ह्या जुव्यांखातीर एक सलग ५०० मीटर वाठाराची तरतूद केल्या. ही तरतूद जुव्यांच्या आकार आनी स्थानाक लागून आडखळीची थारता. जर जुवो ल्हान आसलो जाल्यार पुराय जुव्याक दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी लागूं करची पडटली, आनी जर अशी स्थिती आसली आनी त्या जुव्यांखातीर वेवस्थापन येवजण तयार नासत तर जुव्यांचेर रावपी लोकांची जीण कठीण जातली. एखाद्रो जुवो आकारान मोठो आसत जाल्यार जुव्यांवेले पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठार ५०० मीटर वाठारांत येयच ना अशीय स्थिती आसा. आनीक एका म्हत्वाच्या कारणाक लागून जुव्यांकडे पळोवंचें तें म्हळ्यार दर्याच्या वाडट्या पातळेक लागून वाडिल्ली असुरक्षितताय. ह्या प्रस्नांची उकल करपाखातीर दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ चें मुल्यमापन गरजेचें आसा. दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त अशें नमूद केल्लें की ह्या जुव्याचो विकास एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणेवरवीं जावंचो, जाची मंजुरी केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाकडल्यान मेळोवंची पडटा. समितीक अशी म्हायती मेळ्ळ्या की कांय जुव्याखातीर अश्यो वेवस्थापन येवजण्यो ह्यान पयलींच केल्या आनी ती मंजुरीय मेळयल्या.

समिती अशी शिफारस करता की ह्या जुव्यावेल्या एकवटीत वेवस्थापनाचे नदरेन स्वतंत्रपणान द्विप संरक्षण वाठार अधिसुचोवणी तयार करची, ही अधिसुचोवणी तयार करताना जुंव्यावेली नैसर्गिक परिसंस्था, सामा–अर्थिक परिस्थिती, खासा करून, नुस्तकारांची परिस्थिती, दर्याच्या पातळेंत जावपी वाडीक लागून वाडटी असुरक्षितताय आनी २६ डिसेंबर २००४ च्या सुनामी वसाडींक लागून जाल्लो आघात हांचो विचार करचो. संबंदीत द्विप संरक्षण वाठार अधिसुचोवणी त्या त्या जुंव्यावेल्या प्रशासन आनी जनसमुहांबरोबर चर्चाविमर्श करूनूच मंजूर करची.

जंबुद्विप : जनविरहीत संवर्धन

जंबुद्विप हो बंगालच्या उपदर्यातलो एखाद्रो ठिपक्यासारको जुंवो आसा. ह्या जुंव्यावेले नुस्तें सुकोवपी नुस्तेकारांक वन्यजीव कार्यकर्त्यांनी सन्माननीय सुप्रीम कोर्टांत व्हेल्ल्यान हो जुंवो चर्चेंत आयलो. अर्द्या परस चड खारफुटीचें जंगल आशिल्ल्या ह्या जुंव्याचेर अतिक्रमणाआड न्यायालयांत केस दाखल केली. जंगलाकडे संबंदीत विशयांचेर सन्माननीय न्यायालयाक सल्लो दिवपाखातीर सेंट्रल एम्पॉवर्ड कमिटी स्थापन केल्ली आसता. हे समितीन वयल्या केशीविशीं तयार केल्ल्या अहवालांत अशें मत मांडलां की वनसंवर्धन कायदो, १९८० प्रमाण नुस्तें सुकोवप हें वन आदारीत काम जा–वपाक शकना आनी म्हुणून तें करपाक परवानगी दिवंची न्हय.

नुस्तेकारांनी आपलें म्हणणें मांडलें की तांकां पुराय दिसभर उगड्या दर्याचेर आपलो जीव धोक्यांत घालून ते नुस्तें धरतात. हें नुस्तें सुकोवपाखातीर जंबुद्विप जाका नैसर्गिक बंदराची जागा प्राप्त जाल्या आनी मोकळी जमीन आसा अशें एकूच संक्रमण थळ तांकां उपलब्ध आसा. तांचेकडे शीतगृहाची सोय नाशिल्ल्यान नुस्तें सुकोवन विकप हो एकूच पर्याय तांचेकडे आसा. तांची नुस्तेमारीची पध्दत शाश्वत आसून ताचीं जाळीं हातान विणलेलीं तशेंच जातूंत फकत प्रोढ नुस्तेंच सापडटलें अशा

पध्दतीन विणलेलीं आसात. सैमाकडल्यान ते फकत गरज आसा तितलेंच मेळयतात. नुस्तेकारांनी तांच्या कामाक लागून खारफुटीच्या परिसंस्थेक कसलोच धक्को लागना अशें स्पश्ट केलां. तांकां वन विभागाकडल्यान मेळिल्लो परवानो आनी पावत्यो पळयल्यार हो जुंवो १९५० सावन ह्या कामाखातीर वापरतात अशें दिसून येता. खारफुटीची तोड नगण्य स्वरूपांत आसा. गेल्या कितल्याशाच वर्सांत थंय उपलब्ध २००० हेक्टर खारफुटीभितर फकत २०० हेक्टर खारफुटीचें आवरण कमी जाल्लें उपग्रहाचेर आदारीत छायाचित्रांतल्यान दिसून आयलां. नुस्तेकारांनी ही ह्या जुंव्यावेली वेवस्थापनाची येवजण मांडली जातूंत ते भरतात त्या परवान्याचे पयशे खारफुटीच्या लागवडीखातीर वापरप, बोटींच्या संख्येचेर मर्यादा घालप आनी एकंदर शाश्वत पध्दतीचें वेवस्थापन जुंव्याचेर अंमलांत हाडप, आदीचो आसपाव आसा.

मात तांचें म्हणणें कोणूच आयकून घेना. नुस्तेमारी, नुस्तें सुकोवप, विकूंक व्हरप आनी विकप आदीं कामांत लागी लागीं १० हजार लोक आसपावल्या जांकां फुडारांत हो जुंवो वापरपाचो ना अशें सांगलां. निसर्गाचें संवर्धन हे सुवातेर तांचो इश्ट न्हय तर दुस्मान अशें दिसता.

७.७ नवीन संरक्षण प्रणालीचो स्विकार करप – उदा. सामक्या असुरक्षीत दर्यादिगांचें संरक्षण–संवर्धनाच्या धोरणांचो थळावो जनसमूह खासा करून नुस्तेमार कुटुंबाचेर जावपी परिणामांबाबत चर्चाविमर्श करून स्विकारप.

दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ वरवीं राष्ट्रीय उद्यान/दर्या उद्यान, अभयारण्य, राखीव वन, वन्यजीव अधिवास, खारफुटी, प्रवाळ/प्रवाळ द्विप, नुस्त्याचो प्रजनन वाठार, उल्लेखनीय निसर्गसौंदर्य लाबिल्लीं थळां/इतिहासीक थळां/वारसो थळा जनुकीय विविधताय वाठार, तापमान वृध्दीक लागून वाडपी दर्याच्या पातळीक लागून बुडपी देगो आनी केंद्र सरकार वा राज्यपावंड्यावेली अधिकारी यंत्रणा/केंद्रशासीत प्रदेशांतले यंत्रणेन वेळावेळार घोशीत केल्ले वाठार आनी सुकते आनी भरतेच्या मदलो वाठार–एक मदीं मोडपी देगो घोशीत करपाक जाता. इतल्या वर्सांक ह्या वाठाराच्या व्याख्येविशीं संदिग्ध आनी व्यक्तिनिश्ठ अर्थ लायतात.

पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठाराची व्याख्या स्पश्ट करपाचो यत्न दर्यादिग नियमन वाठार वेवस्थापन अधिसुचोवणी, २००८ त केला. खारफुटी वाठारासान ते पक्ष्यांच्या अंडी घालपाच्या वाठारामेरेन अणा १२ वाठारांची वळेरी तयार केल्या जी अधिसुचोवणेच्या परिशिश्ट दोनांत दिल्या.

तशेंच, समितीक हें लेगीत खबर आसा की देशांतल्या दर्यादिगांक तेंकून बरींच राष्ट्रीय उद्यानां, अभयारण्य आनी दर्या उद्यान वाठार आसात – उदा. चिलका, पुलिकत, पिचावरम, मन्नारचे आखात, वेम्बनाड, कोरिंगा, कच्छचे आखात, आदी. ह्याच भागांत नुस्तेकारसुध्दा रावतात. ह्या जैवसमृध्द प्रदेशांकडे विशेश लक्ष पुरोवपाची गरज आसा. हे वाठार थळाव्या जनसमुहांच्या उपजिवीकेचे आदार आसात आनी विकासकामांकलागून प्रभावीतूय जायत आसा. समितीमुखार ह्या वाठारांविशीं असो प्रस्ताव आयला की ह्या वाठारांक आनीक संरक्षण दिवपाखातीर सामको असुरक्षीत दर्यादिग वाठार म्हुणून घोशीत करपाक मेळटलो. समितीन अशा गजालींची नोंद घेतल्या की अशा केशींनी संवर्धनाच्या यत्नांत थळाव्या नुस्तेकारांची जीण उध्वस्त जावपाचे वाटेर आसा.

ओरिसांत कारणास्तव सहनशक्ती सोंपिल्ल्या कांय नुस्तेकारांनी आत्महत्या केल्ल्याच्यो घडणुको घडल्या. भितरकनिका राष्ट्रीय उद्यानाच्या स्थापनेक लागून तांकां विस्थापीत जावंचें पडलां. अशेच तरेन, बंगालाच्या उपदर्यांतल्या जंबुद्विप नांवाच्या ल्हानश्या जुंव्याचेर नुस्तें सुकोवपाचें काम करपी नुस्तेकारांक धांवडायल्या. पळयात : जंबुद्विप : जनविरयत संवर्धन) अशा कांय घडणुकांची पुनरावृत्ती टाळून नुस्तेकारांचें हीत जपपाचो यत्न जावपाक जाय.

वयल्या गजालींचो सारासार विचार करून सामक्या असुरक्षीत दर्यादेग वाठार स्तापन करपाचो मंत्रालयान विचार करचो अशी शिफारस समीती करीत आसा.

७.८ खारफुटीच्या वाठारांत स्पश्ट व्याख्या करून संरक्षण करप. दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त खारफुटीची खंयचेय परिस्थितींत राखण करपाची तरतूद आसा. मात अशें लक्षांत आयलां की राज्य सरकार खारफुटीची व्याख्या करतना १ हेक्टर घनता आनी १ मीटर उंच वाडिल्ल्या खारफुटीच्या जंगलाचोच खारफुटी शी मान्यता दिवन राखण करता. सन्माननीय मुंबय उच्च न्यायालयान (याचिका क्र.३२४६/२००४) महाराष्ट्र शासनाक खारफुटी वाठाराचे नको करपाचे आदेश दिल्या आनी अशा सगळ्या वाठारांक संरक्षीत वन म्हूण घोशीत करपाक सांगलां. अशें लक्षांत आयलें की खारफुटीचे नकाशे तयार करून तांकां संरक्षीत वन म्हुणून करपाचें काम आजून पुराय जाल्लें ना. व्याख्येतल्या अस्पश्टतायेक लागून कांय विकास प्रकल्पांमदीं व्हडा प्रमाणान खारफुटीचें जंगल ताब्यांत घेवपाची शक्यता आसा. समिती अशी शिफारस करता की खारफुटीक राखण दिवप सामकें म्हत्वाचें आसा. खासा करून खारफुटी दर्यादेगांक जैवकच पुरयतात. नुस्त्यांक प्रजननाखातीर संरक्षित वाठार पुरयतात, सुनामी वा चक्रीवादळाकडल्यान संरक्षण पुरयतात आनी नुस्तेकार समाजाक उपजिवीका प्रदान करतात. आनीक एक म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार खारफुटीची लागवड करप सामकें कठीण. ताका लागून एकदा खारफुटीचे वाठार नश्ट जाले तर नवीन लागवडीसावन आदले सारकें आवरण निर्माण करप खुबूच कठीण आसता.

समिती अशी शिफारस करता की मंत्रालयान पुराय देशांत अस्तित्वांत आशिल्ल्या खारफुटीच्या जंगजाचें आनी संभाव्य खारफुटी वाठारांचे नकाशे तयार करचे खारफुटी वाठाराची नीट व्याख्या करून अशा सगळ्या वाठारांक वनीकरण प्रकल्पांवतीन आसपावीत करून घेवंचे.

हरित भारत प्रकल्पांप्रमाणेच खारफुटीचें पुर्नरोपण, दर्यादेगो, रेवेंच्या चौपाट्यांचें संवधरन करपी प्रकल्प तयार करचे. सगळे खारफुटीचे वाठार जैवकवच म्हूण तशेच दर्या उत्पादनक्षम वाठार म्हूण संरक्षीत करचे.

७.९ सद्याचे आनी फुडारांतले धोके मतींत घेवन दर्याच्या दिकेचें संरक्षीत करप, मात हें करताना नुस्तेकारांच्या उपजिवीकेचेर बंधन येवंचे ना हाची जतनाय घेवप.

दर्यादेगांवेलें पर्यावरण हें दर्यांतल्या उदकाच्या अभिसरणाचेर अवलंबून आसता. आपूण दर्याच्या उदकान व्यापिल्ल्या वाठाराक वगळावन दर्यादेगांचें वेवस्थापन करूंक शकना. तशेंच देगांचेर घडिल्ल्या गजालींचो परिणाम दर्याच्या उदकान व्यापिल्ल्या वाठाराचेरूय जाताच – मागीर तें प्रदूशण आसूं बांदकाम आसूं. समितीक अशी म्हायती पुरयल्या की कशा पध्दतीन बंदर आनी

जेट्टी बांदपाच्या प्रकल्पांनी दर्यांत भराव उडोवन दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेचें उल्लंघन केलां. दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त दर्याकडलो उदकाचो वाठार आसपाविल्लो नाशिल्ल्यान नियमन करप कठीण. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त दर्याचो १२ नॉटीकल मैल वाठार हो उदकाकडली मर्यादारेशा म्हूण मानपांत आयल्या.

दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ मदल्या उपरोक्त तरतुदीक नुस्तेकार समाजान विरोध केला. तांच्या मताप्रमाण हे तरतुदीचो तांचे उपजिवीकेचेर परिणाम जावंक शकता. दर्याविलो तांचो वापर संपुश्टांत येवन उद्येगांक दर्याचेर विकास करपाक मेकळीक मेळटली. हे तरतुदीक लागून अशें निश्चीतूच कांय घडपाक जायना.

समिती अशी शिफारस करता की दर्याकडल्या वाठाराचो दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त आसपाव केला. पूण, नुस्तेकार समाजाचें हीत धोक्यांत घालून अशी दुरूस्ती न करता कडक तशेच परिणामकारक तरतूद तयार करची.

७.१० दर्यादिगांच्या राखणेपासत सगळ्या स्तरांवेल्या नियमन क्षमतांक घटमूट करप

हें स्पश्ट आसा की दर्यादिगांमुखार बरींच आव्हानां आसात. जर तांचो वेवस्थीत सामनो करपाचो आसा तर दर्यादिगांचेर संशोधन करपी संस्था गरजेची आसा. सद्या धोण आनी वेवहारातले बदल हाडपाखातीर उपेगांत येवपी गिन्यान आनी तेसंदर्भांतली म्हायती संकलन हातूंत खूब व्हड तफावत आसा. उत्तम निर्णय प्रक्रिया राबोवपाखातीर केंद्र आनी राज्य पावंड्याचेर अस्तित्वांत आशिल्ल्या नियमन संस्थांक अदीक घटमूट करपाची गरज आसा. हातूंत नव्यान दर्यादिग वाठार वेवस्थापन संस्था उबारपाचोय आसपाव आसचो. सद्या अस्तित्वांत आशिल्ल्या संस्थांची क्षमता वाडोवप आनी दर्याविशयक संशोधनांतल्या नव्या संस्थांची निर्मिती गरजेची आसा. तशेंच हातूंत लोकांचो सहभाग-खासा करून नुस्तेकार आनी पर्यावरणवादी संस्थांकडल्या गिन्यानाचो उपेग करून घेवप. तशेंच मंत्रालयाक मदत करपाखातीर राष्ट्रीय शाश्वत दर्यादिग वेवस्थापन मंडळ स्थापन करपाक जाता जें केंद्राबरोबरूच राज्य सरकाराकूय धोरण तशेंच कायद्यांच्या संदर्भात आनी अंर्तविरोधांतूय मार्ग काडपाक मदत करतलें.

समिती अशी शिफारस करीत आसा की दर्यादिगांची राखण करपाखातीर संस्थात्मक क्षमतांचो विकास करप सामकी गरजेची गजाल आसा.

७.११ फुडारांतली दर्याच्या पातळेंत जावपी वाड आनी दर्यादिगांची असुरक्षीतता हेविशीं धोरण आंखप.

समितीचें अशें मत आसा की देशांतल्यो दर्यादिगो फुडारांत उप्रासपी दर्याच्या उदकाच्या पातळेंत जावपी वाडीक लागून धोक्यांत आयल्यात. दर्याकडल्यान येवपी वादळां आनी राक्षसी वसाडींचोय धोको नेमान आसा. हाका लागून फकत दर्यादिगांचेर रावपी लोकांकूच धोको आसा अशें न्हय तर पुराय दर्यादिगांवेल्यो जैवीक परिसंस्थाय धोक्यात आसा जी लाखांनी लोकांच्या उपजिवीकेचो आदार आसा. मंत्रालयान हेखातीर पुराय दर्यादिगांचेर असुरक्षीत वाठार आनी धोक्याच्यो रेशा आंखून घेवप सामकें गरजेचें आसा. सद्या अदमास केल्ली दर्यापातळेची वाड

आनी हेर धोक्यांचो विचार केल्ल्यान सद्याच्या आनी फुडारांतल्या धोक्याचें आकलन करप शक्य जातलें. अशे असुरक्षीत वाठार आनी धोक्याची रेशा एकदां आंखली की त्या वाठाराचो दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त आसपाव करप. अशें केल्ल्यान अतिम्हत्वाचीं थळां आनी चड लोकसंख्या आशिल्ले वाठार हांकां वेवस्थीत राखण दिवप जातलें. हेबाबतीन जावपी अभ्यासांतल्यान दर्यादिगांच्या संरक्षणाबाबतचीं धोरणां निश्चीत करपाक मजत जातली. हें स्पश्ट आसा की कांय विध्वंसासावन बचाव करपाखातीर अनुकूल संरक्षण यंत्रणा उबारपाचेर आनी गुंतवणुकीचेर भर दिवपाची सामकी गरज आसा.

# परिशिश्ट १ :

क्रमांक ११-८३/२०५-आय.ए.-तीन (पी.टी.)
भारत सरकार
पर्यावरण आनी वन मंत्रालय
(आय.ए.-तीन विभाग)

पर्यावरण भवन,
सी.जी.ओ.कॉम्प्लेक्स, लोधी रोड,
नवी दिल्ली - ११०००३.
दिनांक १५ जून २००९

आदेश

विशय : दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक निमणें रूप दिवपापासत तज्ञ समितीची स्थापणूक.

१. पर्यावरण आनी वन विभागाचे एस. ओ. क्र. १०७० (इ) तारीक १.५.२००८ दिसा दर्यादग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेचो मसुदो जारी केला आनी ह्या अधिसुचोवणेंत क्र. एस. ओ. क्र. ११२०(इ), तारीक ९.५.२०८ रोजी करून पर्यावरण (संरक्षण) अधिनियम, १९८६ वरवीं लोकांनी ६० दिसांभितर ताचेर सुचोवण्यो तशेंच हरकती दाखल करपाबाबत दुरूस्ती केली. तशेंच राज्य सरकाराच्या विनवणेक धरून ही अधिसुचोवणी तारीक २२ जुलै २००८ दिसा परत उजवाडायली.

२. मंत्रालयाक दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेचेर व्हडा प्रमाणान प्रतिक्रिया मेळ्ळ्यो. ह्या प्रतिक्रियांचें मुल्यमापन करपातीर मंत्रालयान प्राध्यापक एम. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला एक तज्ञ समिती स्थापन केली. हे सिमतीचेर आशिल्ल्या वांगड्यांची नांवां अशीं -

१) प्राध्यापक एम. एस. स्वामिनाथन, अध्यक्ष, एम. एस. स्वामिनाथन रिसर्च फावंडेशन, ३ री क्रॉस गल्ली, इन्स्टीट्युशनल एरिया, तरामणी, चेन्नय - अध्यक्ष
२) डॉ. शैलेश नायक, सेक्रेटरी, दर्या विकास विभाग, नवी दिल्ली.
३) श्रीमती. सुनिता नारायण : सेंटर फॉर सायन्स अँड एन्व्हायर्नमेंट ४१, तुघलकाबाद इन्स्टीट्युशनल एरिया, नवी दिल्ली - ११००६२.
४) श्री. जे. एम. माऊस्कर, अॅडिशनल सेक्रेटरी, पर्यावरण आनी वन मंत्रालय.

३. ही समिती -

१. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ बाबत मंत्रालयाकडे आयिल्ल्या प्रतिक्रियांचें मुल्यमापन करप.
२. एकवटीत दर्यादिग वाठार वेवस्थापन साध्य करपापासत धोरण अकनी कायदेशीर चौटकीबाबत सल्लो दिवप.
३. समिती गरज लागल्यार चड वांगड्यांक घेतले आनी ताचो अहवाल तारीक १५ जुलै २००९ दिसा सादर करतली.

४. समिती तिच्यो सभा देशांत खंयसरूय घेवंक शकतली. बिगर सरकारी वांगड्यांक टि.ए./डी.ए आनी सिटींग फी नेमाप्रमाण दितली.

५. आय.एफ.डी. डेप्युटी क्रमांक ४१८/डि.एस/आयएफडी तारीक ११ जून २००९ प्रमाण लागूं

(डॉ. ए. सेंथिल वेल)
अॅडिशनल डायरेकटर
टेलिफॅक्स : २४३६०६९४
इमेल : **senthil.vel@nic.in**

✓



# परिशिश्ट २ :

| अनु.क्र. | कामांची वळेरी | वाठार-एक १ (१) | वाठार-दोन १ (२) | वाठार-२ | वाठार-तीन (भरतीरेशा ते २०० मीटर) | वाठार-तीन (२००-५०० मीटर) | वाठार-चार |
|---|---|---|---|---|---|---|---|
| १. | नवीन उद्येग | X | X | X | X | X | X |
| २. | उद्येगधंद्याचो विस्तार | X | X | X | X | X | X |
| ३. | अणुउर्जा प्रकल्प | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ४. | म्हायती आनी तंत्रगिन्यान | X | X | X | ✓(सेझ) | ✓(सेझ) | X |
| ५. | खाशेलो अर्थिक वाठार (सेझ) प्रकल्प | X | X | ✓(सेझ) | ✓(सेझ) | ✓(सेझ) | X |
| ६. | अपारंपारीक उर्जा | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ७. | डिसॅलिनेशन | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ८. | हवाई पट्टी | X | X | ✓(लक्षद्विप) | ✓(लक्षद्विप) | X | ✓ |
| ९. | पी.ओ.एल. उत्पादन | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| १०. | एल.अँड.जी | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | X |
| ११. | मस्त्य प्रक्रिया | X | X | X | X | X | X |
| १२. | मत्स्यबीज नर्सरी | X | X | X | X | X | X |
| १३. | नुस्तें सुकवप | X | X | X | ✓ | ✓ | ✓ |
| १४. | प्रक्रिया केल्लें सांडउदक | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | X |
| १५. | पर्जन्य जलवाहिनी | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | X |
| १६. | शारातलो कयर | X | X | X | X | X | X |
| १७. | भराव | X | X | X | X | X | X |
| १८. | टी.पी.एस.ची राख | X | X | X | X | X | X |
| १९. | भरावांतल्यान जमीन तयार करप | X | ✓(P&H) | ✓(P&H) | ✓(P&H) | ✓(P&H) | ✓(P&H) |
| २०. | बंदर विस्तार | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २१. | जेट्टी | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २२. | धक्को | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २३. | कवे धक्को | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २४. | गोदीतलो उतार | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २५. | ब्रिज | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २६. | सी-लिंक | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २७. | धूप रोधक | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २८. | ल्हारांचे नियामक | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| २९. | खारसाणीचो शिरकाव आडावप | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ३०. | वेपारी संकुल | X | X | | X | X | X |
| ३१. | रेव/फातराचे खाणकाम | X | X | X | X | X | X |
| ३२. | दुर्मिळ खनीज | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ३३. | तेल आनी वायू | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ३४. | भूजल काडप | X | X | ✓ | X | ✓ | ✓ |
| ३५. | फळबाग | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ३६. | शेतवड | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |

फुडें चालू...

| अनु.क्र. | कामांची वळेरी | वाठार-एक १ (१) | वाठार-दोन १ (२) | वाठार-२ | वाठार-तीन (भरतीरेशा ते २०० मीटर) | वाठार-तीन (२००-५०० मीटर) | वाठार-चार |
|---|---|---|---|---|---|---|---|
| ३७. | मत्स्यशेतवड | X | X | X | X | ✓ | ✓ |
| ३८. | पायपलायन | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ३९. | रेवेंच्या चौपाट्यांनी हस्तक्षेप | X | X | X | X | X | X |
| ४०. | सरंक्षण प्रकल्प | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ४१. | वाहन वेवस्था | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ४२. | ट्रांसमिशन लायन्स | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ४३. | जहाजात चडपाची जागा | ✓(लक्षद्विप) | X | X | X | X | |
| ४४. | औष्णिक उर्जा प्रकल्प | X | X | X | X | X | X |
| ४५. | घरबांदणी प्रकल्प | X | X | ✓ | X | X | X |
| ४६. | हवामान मापक रडार | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ४७. | पुरातत्व वा वारसा थळ पाडप वा परत बांदप | X | X | X | X | X | X |
| ४८. | दवाखानो | ✓(सुंदरबन | X | ✓ | ✓ | ✓ | X |
| ४९. | शाळा | ✓(सुंदरबन | X | ✓ | ✓ | ✓ | X |
| ५०. | पावसासावन संरक्षण पाखें | ✓(सुंदरबन | X | ✓ | ✓ | ✓ | X |
| ५१. | भौशीक शौचालय | ✓(सुंदरबन | X | ✓ | ✓ | ✓ | X |
| ५२. | रस्तो | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | X |
| ५३. | उदका पुरवण | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ५४. | सांडउदक | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ५५. | गटार | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ५६. | मिठागर | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ५७. | धान्याचे कोठे | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ५८. | सान्याचे कोठो | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ५९. | खावपाच्या तेलाचो कोठो | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ६०. | जार्दीन | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ६१. | खेळामळ | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ६२. | जंगल | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |
| ६३. | चौपाटीवेले रिपोर्ट | X | X | ✓ | X | ✓ | ✓ |
| ६४. | प्रवाळांतलें खाणकाम | X | X | X | X | X | X |
| ६५. | उदकासयकल सुरूंगस्फोट | X | X | X | X | X | X |
| ६६. | निवासस्थाना | X | X | ✓ | X | ✓ | ✓ |
| ६७. | इमारतींची पुर्नबांदणी | X | X | ✓ | ✓ | ✓ | ✓ |

नोंद : वयल्या कामांचो तपशील हो दरेका राज्य सरकार/केंद्रशासीत प्रदेशाची दर्यादिग वेवस्थापन वाठार येवजण, न्यायालयाचे आदेश, थळाव्या नियामक यंत्रणेन काडिल्लो अर्थ आनी दर्यादिग नियमन वाठारा अधिसुचोवणी, १९९१ मदल्या विशिश्ट परिच्छेंदांतल्या तरतुदींक धरून थारायतात. एकादें काम किटीपरस उण्या अदमास पत्रकाचें आसत जाल्यार ताका राज्य सरकाराची मंजुरी मेळूं येता आनी ५ कोटी परस चड अदमासपत्रकाच्या कामाक केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाची मंजुरी घेवंची पडटा.

# परिशिश्ट ३ : दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ बाबत दर्यादेग लाबिल्ल्या राज्यांच्यो प्रतिक्रिया/शिफारसी

| क्र. | राज्य | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| १. | गुजरात | दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ ची अंमलबजावणी करची.<br>दर्यादेगविशीं धोरण आनी कायद्यांत दर एक राज्य आनी तातूंतल्या दर एका दर्यादेगेक वेगवेगळ्या पध्दतीन हाताळपाखातीर लवचिकता जाय.<br>दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या अंमलबजावणींत सरकाराच्या तरेकवार विभागांनी कामां हाताळटना सुसुत्रता कशी आसतली हाचेर स्पश्टता येना. | वाठारांची विभागणी स्पश्टपणान जाल्ली ना.<br>नुस्तेकारांचे उपजिवीकेचे हक्क दुर्लक्षीत केल्यात.<br>एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणेंत थळाव्या जनसमुहांची भुमिका नमूद केल्ली ना. | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करची. |
| २. | महाराष्ट्र | दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ गेलीं १६ वर्सां अस्तित्वांत आसतना आजुनूय भरती आनी सुकती रेशा स्पश्ट केल्ली ना.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी अंमलबजावणेंत ग्रामपंचायत आनी हेर सरकारी यंत्रणेची भुमिका स्पश्ट जायना. | थळाव्या आनी नुस्तेंकार जनसमुहांचे हक्क आनी उपजिवीका तशेंच दर्यादेग परिसंस्थांक संरक्षण ना.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक लागून दर्यादेगांचेर वेपारी हेतून प्रीत गजालींक मेकळीक मेळटली.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत वेवस्थापनाचीं कामां संदिग्ध आसात. | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक तेंको ना.<br>दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ आनीक घटमूट करून ताच्या नियमनांत थळाव्या लोकांचो सक्रीय |
| ३. | गोवा | दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्यो कांय बऱ्यो तरतुदी आसपावन घेवन ती घटमूट करची. उदा. सेटबॅक लायन, प्रत्यक्ष अंमलबजावणीखातीर एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजण कार्यक्षम आनी परिणामक्षम करची. | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ ची मसुदो प्रक्रिया वादग्रस्त आसा.<br>जर दयादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी २००८ लागूं जाली तर दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ च्या तरतुदीचें उल्लंघन नियमीत करून घेवपाचो भंय आसा. | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करची. |
| ४. | कर्नाटक | आपल्या उपजिवीकेखातीर दर्यादेगांलागीं रावपी नुस्तेकार जनसमुहांचे हक्क दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त न्हयकारल्या.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी वरवीं दर्यादेग परिसंस्थेची राखण जावपाकूच जाय. दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-दोनांत सगळ्या नुस्तेकार गांवांचो आसपाव जातलो आनी पुर्व देग सगळ्यांखातीर उत्त्की जातली कारण एरिया ऑफ पर्टिक्युलर कर्न्सन ह्या वर्गवारींत एका चौ.कि.मी.त ४०० व्यक्तींची घनताय हांगा गृहीत धरल्या. | लोकांचीं घरां बांदप तशेंच तेसारक्या कामांच्या नदरेन सेटबॅक लायन म्हळ्यार लक्ष्मणरेशाच जाली.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेवतीन पुरस्कृत शारीकरण दर्यादेग परिसंस्था तशेंच पर्यावरणाचो विध्वंस करतले.<br>दर्यादेग नियमनवाठार अधिसुचोवणी १९९१ लागूं जाल्या उपरांतचीं उल्लंघनां दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त नियमीत करून घेतले. | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करची.<br>दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ ची कडक अंमलबजावणी करची.<br>उल्लंघन करप्यांचेर कडक कारवाय करची. |

| क्र. | राज्य | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| ५. | केरळ | दर्यादिग लाबिल्ल्या दर एका राज्याचो विकास तशेंच राखणेची स्वतंत्र येवजण आसची.<br>केरळांत बॅक वॉटर आनी ४० न्हंयो आसात ज्यो भरतेक लागून प्रभावीत जाता. तांचो दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या, २००८ च्या वाठार-तीनांत आस्पाव जातलो. ताका लागून, दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त फकत दर्यादिग गृहीत धरता ल्यािर दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत भितरलो न्हंयवाठारूय गृहीत धरतले.<br>सेटबॅक लायन स्पश्ट ना. | दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ लागूं जाल्या उपरांतचीं उल्लंघनां दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त नियमीत करून घेवपाचो भंय आसा.<br>संबंदीत अधिसुचोवणी ही उद्योगधंदे, पर्यटन, खणी तशेंच बांदकाम वेवसायिकांच्या सोयीखातीर केल्या अशें दिसता.<br>दर्यादिग नुस्तेकारांकडे परंपरेन चलत आयला. तांकां तांच्या ह्या घरांतल्यान भायर काडूं नाकात. | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करची.<br>दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक तेंको ना. |
| ६. | आंध्र प्रदेश | १२ नॉटीकल मायल्स दर्यावाठारांत खंयच्याखंयच्या कामाक परवानगी आसा ताची वळेरी जाय आनी नुस्तेकारांच्या उपजिवीकेचेर गदा हाडपी कामांक परवानगी दिवं नाका.<br>सागर संसाधन, नुस्तेकारांचे हक्क आनी दर्या पर्यावरणाची राखण करपाखातीर सगळ्याचो आस्पाव आशिल्ल्या कायद्याची सामकी गरज आसा. नुस्तेकारांचे पारंपारीक हक्क हातूंत स्पश्ट जावंक जाय.<br>जन-परिसंवादांत नुस्तेकार जनसमुहांचे आनी पंचायत यंत्रणेचे फावोशें प्रतिनिधीत्व घेवन तांची मतां जाणून घेतल्या उपरांतून निमणो निर्णय घेवंचो.<br>दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त नुस्तेकारांचे पारंपारीक हक्क, उपजिवीकेच्यो गरजो आनी दर्यादिग परिसंस्थेची राखण जाता. | दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी १९९१ त दर्यादिगांच्या राखणेचो हेतू आसा जाल्यार दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ दर्यादिगांच्या विकासाचो वा उद्येगधंद्याचो हेतू मतींत येता.<br>दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी १९९१ मीटराची तरतूद तशीच दवरून दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ मदल्या सेटबॅक लायनची संकल्पना दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त आसपावन घेवंची. | दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ आनीक घटमूट करून ताच्या नियमनांत थळाव्या लोकांचो सक्रीय आसपाव करून घेवंचो.<br>दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करची. |
| ७. | ओरिसा | दर्यादिगांचें वेवस्थापन करपाखातीर सगळ्यांचो आस्पाव आशिल्ल्या कायद्याची गरज आसा.<br>परदेशी नुस्तेकार बोटींक देशाचे दर्याचे हद्दींत प्रवेश दिवंचो न्ही.<br>दर्यादिगांचेर येवपी उद्येगीक प्रकल्प पळयल्यार, आपल्या वाठारांत कितें येवपाक दिवंचें हा-चो निर्णय घेवपाखातीर थळाव्या जनसमुहांक नियोजन करपाचे अधिकार जाय. | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या नांवान दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या तरतुदींचो भंग केल्लीं कामां नियमीत करून घेतले.<br>जांचो दर्याकडे पयलो संबंद आसा त्या थळाव्या जनसमुहांक विश्वासांत घेयना.<br>दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेवरवीं बऱ्यच गजालींक संवेदनशील परिसंस्थेंत वचपाक सवलत दिल्या.<br>जे परंपरागत दर्याकडे जोडिल्ले आसा त्या नुस्तेकारांक कुशीक काडून नवीनूच लोकांक दर्यादिगांचे निर्णय घेवपाखातीर दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत आसपावन घेतल्या. | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ रद्द करची.<br>दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ ची कडक अंमलबजावणी करची.<br>उल्लंघन करप्यांचेर कडक |

| क्र. | राज्य | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| ८. | पश्चिम बंगाल | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या दर्यादिगांची वर्गवारी आनी वेवस्थापनाची पध्दत नीट स्पश्ट करची.<br><br>मसुद्यांतलो शाश्वत विकास, शाश्वत दर्यादिग वाठार वेवस्थापन पद्धती, उत्तम शास्त्रीय तवप्रणाली अश्यो संकल्पना स्पश्ट केल्ल्यो ना. | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेन आदल्या दयादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या तरतुदींची ताकद वळखूंक ना. हाचें उरफाटें उल्लंघनांक नेमान करून घेवपाचो चड भंय आसा.<br><br>ग्रीनफिल्ड एअरपोर्टचाो उल्लेख दुरूस्तींत आसलो तरी अधिसुचोवणेंत ना. | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ ही थळाव्या जनसमुहांक उपेगाची ना. |

## नुस्तेकार मंचाच्यो प्रतिक्रिया

| राज्य | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|
| | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| राष्ट्रीय नुस्तेमार मंच, कोलकाता | दर्यादिग परिसंस्थेची राखण आनी थळाव्या जनसमुहांच्या मुळाव्या हक्कांची तशेंच उपजिवीकेची राखण जावपाक जाय. दर्यादिग वाठार नियोजनांत दयाक केंद्रस्थानाचेर मानचें.<br><br>नुस्तेकार तशेंच थळाच्या जनसमुहांक विशसांत घेवन दर्यादिग वेवस्थापन येवजण करप.<br><br>लोककेंद्री निर्णय प्रक्रिया राबोवंची, सरकारी आदेश राबोवपाची निर्णय प्रक्रिया आसची न्हय. खंयच्याय कायद्याच्या मसुद्याक निमणें रूप दिवंचे पयलीं संसदीय समितीन सुचयल्ल्या प्रमाण चर्चा जावंची.<br><br>खंयच्याय कायद्याच्या मसुद्याक निमणें रूप दिवंचे पयलीं संसदीय समितीन सुचयल्ल्या प्रमाण चर्चा जावंची. | दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या उल्लंघन थारायल्ल्या गजालींक दर्यादिग वेवस्थापन वाठाारंत नियमीत करून घेवपाचो यत्न दिसता.<br>थळाव्या जनसमुहांचो दर्यादिग आनी दर्या संपत्तीवेलो हक्क हिसकावन घेत वेपारी/ उद्येगधंदे, पर्यटन, तेलशुध्दीकरण तशेंच खाणकामांखातीर मेकळीक दवरपाची तरतूद केल्या.<br>राष्ट्रीय नुस्तेकार मंच परत एकदां एम.एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला नेमिल्ले दुसरे समितीन सुचयल्ल्या शिफारशी मानिना.<br>३० जून २००९ दिसा राज्य पावंड्यावेलें धरणें आंदोलन जाहीर करून राष्ट्रीय नुस्तेकार मंच पर्यावरणमंत्री तशेंच हेर मंत्र्यांक जुलै २००९ त मेळटले. केंद्रीय पर्यावरण आनी वनमंत्र्यान तांकां कालावधी दिला. | |

केंद्र सरकार

| अनु क्र. | मंत्रालय/ विभाग | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| १. | शेती मंत्रालय | पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठारांतल्यान रेवेंच्यो चौपाट्यो, पुळण, दलदलीचीं मैदानां, दर्यादिगांवेले गोड उदकाचे साठे हांकां वगळ-पाचे.<br>सेटबॅक लायनीची व्याख्या सामकी संदिग्ध आसून तिचो चुकीचो अर्थ काडपाची शक्यता आसा.<br>सेटबॅक लायन दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी मंजुर जाल्या उपरांत २ वर्सांत आंखपाची आसा. तेखेरीज ती मंजुर जावंचे पयलींच आंखून घेवंची.<br>अधिसुचोवणी थळावे भाशेंत दिवंची. | परिशिश्टस(१) (क) मदल्या मत्स्यबीज नर्सरी आनी दर्यादिगांवेल्या कृत्रीम मस्त्योत्पादन जांचे नियमन कोस्टल ॲक्वाकल्चर ऑथॅरिटी ॲक्ट, २००५ वरवीं कतात, ताचो उल्लेख मारी कल्चर असो करप. हो उल्लेख गरजेचो आसा कारण कोस्टल ॲक्वाकल्चर ही एकूच पध्दत आसा अशें मानिना. कोस्टल ॲक्वाकल्चर ऑथॅरिटी ॲक्ट, २००५ वरवीं दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंत ॲक्वाकल्चराक मान्यता आसा. | |
| २. | नगरविकास मंत्रालय | हवामानांतले बदल, भूकंपप्रवण वाठार आनी नैसर्गिक धोके लक्षांत घेवन सेटबॅक लायनीचें मुल्यमापन करचें.<br>नकाशो करपाची प्रक्रिया करपाखातीर गरजेची यंत्रणां कितें आसतली तेविशीं स्पश्टीकरण जाय. | पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठार थरयतना थळाव्यो गरजो आनी सद्याच्या तरतुदींचो विचार करचो.<br>राष्ट्रीय मंडळांत अंदमान तशेंच निकोबार जुंव्यांचेर आदिवासींच्या प्रतिनिधींचो आसपाव करचो. | |
| ३. | नगरविकास मंत्रालय | दर्याचें चैतन्य तशेंच गतीशिलता लक्षांत घेवन सेटबॅक लायनीचे निकश विचारांत घेवंचे.<br>पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठार थरोवन घेवंचे. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी वेपार नियम, १९६१ च्या सारकी आसची. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतल्यो तरतुदी नगर रचना, थळाव्या स्वराज्य संस्थेचे अधिकार, नागरी सुविधा उदा. उदकपुरवण, गटारां, सांडउदक, भलायकी आदीच्या विरोधांत वचपी आसूंक जायना. | | |
| ४. | नागरी उड्डाण मंत्रालय | परिशिश्ट स मदली दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-तीनांत परव-ानगी आशिल्ल्योगजाली जांचें पर्यावरणीय आघात मुल्यमापन जालां आनी पर्यावरण वेवस्थापन येवजण पर्यावरण मंत्रालयांतल्यान संमत जाल्या. ताचो विस्तार आनी तातूंत सुदारणा हाडप जातूंत सद्याचें विमानतळ, हेलिपोर्ट आनी ग्रीनफिल्ड एअरपोर्ट हांचो आसपाव आसा आनी जे दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-एकांत मोडटा. अर्थिक नदरेन तशेंच दळणवळणाच्या माध्यमांतल्यान संपर्कांत आसपाक गरजेची आशिल्ले प्रवाळ जुवें, उदा.अंदमान तशेंच निकोबार आनी लक्षद्विप जुवीं. | | |

केंद्र सरकार

| अनु क्र. | मंत्रालय/ विभाग | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| | सिडको | एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजण तयार करपाखातीर थळाव्या सरकाराक आनी मंजुरी दिवपाखातीर पर्यावरण मंत्रालयाक थरावीक काळमयारदा नेमची. राष्ट्रीय दर्यादेग वाठार वेवस्थापन प्राधीकरण आनी राज्य दर्यादेग वाठार वेवस्थापन प्राधीकरण हांची भुमिका स्पश्ट करपाची गरज आसा.<br>मानवनिर्मित उदकसाठ्यांत उदा. होल्डिंग पॉन्ड्स फ्लड कंट्रोल चॅनल आदी. वाडपी खारफुटीच्या वाठाराचो आसपाव दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-एकांत करचो न्ही. बंदर, दर्या येरादारीचे धक्के, जलक्रिडा केंद्र हांचो दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-तीनांत आसपाव करचो. | एकदां सेटबॅक लायन आंखली की थळाव्या यंत्रणेवरवीं मंजुर जाल्ल्या विकासाचीं कामां करपाक परवानगी मेळपाक जाय. एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणेंतल्यो अटी रद्द करच्यो. | |
| ५. | वेपार आनी उद्येग मंत्रालय | | | प्रतिक्रिया ना. |
| ६. | पेट्रोलियम आनी नैसर्गिक वायू मंत्रालय | दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ क धरून क्रूड ऑयल पायपलायन आनी प्रॉडक्ट पायपलायन कॉरिडॉर अशा पॅराडीप रिफायनरी प्रोजेक्टाखातीर गरजेची जेटी आनी सोयीसुविधा रिफायनरीच्या हद्दीत उबारतात अशा उच्च गुंतवणुकीच्या प्रकल्पांचो नवीन अधिसुचोवणेंत फावो त्या प्रमाण आसपाव करचो. | न्हंय आनी दर्याच्या एकठांय येवपाच्या खाडी वाठाराक १०० मीटराची सेटबॅट लायन आंखून दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-तीनांत दवरप. असो खाडी वाठार आय.ओ.सी.एलाच्या पॅराडीप रिफायनरी प्रोजेक्टामदीं संत्रा-खाडी (चाळीस चौरस किलोमीटर नालो) म्हुणून वळखता. ओरिसा सरकाराच्या जलसंसाधन विभागाच्या ऑक्टोबर १८ च्या रिपोर्टांत कॅचमेंट एरिया आनी ओरिसा सरकाराच्या वन आनी मंत्रालय विभागाच्या १०० मीटर सेटबॅक लायन रिफायनरीचो आराखडो दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९० प्रमाण तयार करून १०० मीटराची सेटबॅक लायन | |
| ७. | अणू उर्जा विभाग | अणू उर्जा विभागाचे प्रकल्प दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ मदल्या तरतुदींक धरूनच करतात. तेचप्रमाण मोनाझाईट सारक्या दुर्मिळ खनिजाचें उत्खनन फकत दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या भागांतूच परवानगीवरवीं करतात. म्हुणून दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ प्रमाण दर्यादेग | | |

केंद्र सरकार

| अनु क्र. | मंत्रालय/ विभाग | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| | | अणू उर्जा विभागाच्या फुडल्या प्रकल्पांक आसपाव करून घेवंचो.<br>अणुउर्जा विभागाच्या सद्याच्या प्रकल्पांचो विस्तार आनी आधुनिकीकरण आनी दर्यादिग वाठारांत मोनाझायट मीनाचो उत्खनन वाठार. | | |
| ८. | (अ) स्पेस नॅशनल रिमोट सेन्सिंग एजन्सी, हैद्राबाद | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत १२ नॉटीकल मायल्स ही दर्याकडली उदकाची हद्द थरयल्या जी दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या दर्यादिगांच्या हद्दीपरस वेगळी आसा. दर्यादिगांची शाश्वत राखण आनी पर्यावरण संवर्धनाच्या नदरेन ही शास्त्रीय दिका आसा.<br>एकवटीत दर्यादिग वाठार वेवस्थापन येवजण ही जमनीचो वापर आनी विकासाच्या अंमलबजावणेची संकल्पना आसा. ताका लागून दर्यादिगांच्या फुडारांतल्या दिर्घकालीन राखणेक मदत जातली. सेटबॅक लायन हो दर्यादिग वेवस्थापन वाठार आनी एकवटीत दर्यादिग वेवस्थापन येवजणेचो पाया आसून ह्यान पयलींच्या ५०० मीटराच्या हद्दी बदला घेतला. सेटबॅक लायन आंखपाखातीर काळमर्यादा स्पश्ट करूंक ना. | सेटबॅकलायन ही दर्या देगांवेली भुगोलीक स्थान असुरक्षितता, भरती-सुकतीक लागून प्रभावीत जाल्ले वाठार हाका धरून आंखतात. अशी रेशा आंखपाखातीर त्या भागाचो भुगोलीक इतिहास आनी रिमोट रेसींग तशेंच जि.आय.एस. सारक्या आध-नीक तंत्रगिन्यानाच्या पालवान आंखची.<br>एकवटीत दर्यादिग वाठार वेवस्थापनामर्दी दर्यादेगांचेर राबबी लोकांच्या आनी मालमत्तेच्या राखणेखातीर निर्णय प्रक्रियेचो वाव दवरला. हातूंत दर्यादिगांवेल्या संसाधनाचें संवर्धन आनी शाश्वत विकास करपाक वाव आसा. | प्रतिक्रिया ना. |
| ८. | (ब) स्पेस ॲप्लिकेशन सेंटर, अहमदाबाद | क्रमांक-६ : खाडी, सरोवर आदी दर्यादिगांवेल्या गोड्या उदकाचे साठे. खाडी हे दयादेगांवेल्या गोड्या उदकाचे साठे आसूंक शकना. ते बदला अशा भरती-सुकतीच्या वेळावयले वाठार वा न्हयंमूख म्हणचे खाडी आनी खाऱ्या उदकाचे सरोवर भारतीय दर्यादिगांवेल्या खुब सुवातेवेल्या भरती-सुकतीच्या प्रक्रियेचेर अवलंबून आसता. सगळे द्विप सरोवर ही भरती-सुकती प्रक्रियेचेरूच अवलंबून आसता. गुजरातांतल्या खारफुटीच्या वाठारांतल्यो खाडी लेगीत परीयपणान भरती-सुकतेच्या प्रक्रियेचेर अवलंबून आसा. | | |
| ९. | अणू उर्जा विभाग | एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापनेच्या व्याख्येंत दर्यादिग आनी दर्या परिसंस्था तशेंच संसाधन हांची राखण तशेंच संवर्धन आसपावन घेवंचें.<br>दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या | सेटबॅक लायन आंखप गरजेची आसली तरी केंद्र सरकाराखातीर ही एक खूब व्हड जबाबदारी आसा. तेखातीर ल्हान प्रमाणांतले नकाशे उदा. १.२५००० कॅडेस्ट्रल स्केलीचेर अशे नकाशे तयार करपाचें | |

केंद्र सरकार

| अनु क्र. | मंत्रालय/ विभाग | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| | | वाठार-चार (ब) मर्दीं बॅक वॉटर आयलंड हाचें वर्गीकरण सारकें दिसना. अशा जुंव्यांचो आसपाव अंदमान आनी निकोबार आनी लक्षद्विप जुंव्यांच्या बरोबर करूंक शकना.<br>ही सुचवणी करपाचें कारण अशें की दर्या सपाटीसावन उंचीचो अभाव, जीओमॉर्फोलॉजी, दर्याच्या पातळेंतलो चड उतार आनी दर्या देगांची धूप हें आसा. | काम संबंदीत संस्था, थळाव्यो स्वराज्य संस्था वा राज्य सरकार हांकां दिवंच्यो. | |
| १०. | जहाज मंत्रालय रस्ते आनी महामार्ग आनी मोठीं बंदरां प्राधीरण | प्रस्तावीत, राष्ट्रीय शाश्वत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन मंडळ हाचेर जहाज उद्येग विभागाक कायम स्वरूपाचें वांगडीपद दिवंचें.<br>विमानतळांक लागूं आशिल्ल्या निकश जहाज बांदणी यार्ड आनी बंदराच्या विस्ताराक आनी आधुनिकीकरणाक लागूं करचो.<br>दर्या देगांचेर आशिल्ल्या स्पेशल इकॉनॉमिक झोनामदल्या उद्येगधंद्यांचो उल्लेख दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत करचो जेणें करून सेझखातीर गरजेची पर्यावरणीय मंजुरी घेवप सोंपें जातलऐं.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त नमूद १२ नॉटीकल मायल्स स्पश्ट जायना.<br>के.पी.टी.के उपलब्ध जमीन ही मुखेलपणान भरती-सुकतेक लागून प्रभावीत आनी खारफुटी तशेंच दलदलयुक्त आसा, म्हुणून दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतलो वाठार-एकाखातीर एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजण तयार करतना फुडारांतल्या बंदर विकास प्रकल्पांचो विचार करचो.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठार-दोन मदल्या परिच्छेद स (तीन) त सकयल्या परिच्छेदाचो आसपाव करचो.<br>बंदरासारक्या अर्थिकनदरेन म्हत्वाच्या वाठाराखातीर जहाज, रस्ते आनी महामार्ग मंत्रालयाचो जहाज विभाग एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजण तयार करतलो आनी पर्यावरण मंत्रालयाक सादर करतलो.<br>परिशिश्ट स (तीन) वस्तू (धा) बाबत सुदारणा करची. | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ वरवीं तयार जावपी एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणेंत मोठ्या बंदरांक स्वतंत्रपणान हाताळचें. सेटबॅक लायन वाठारांतल्या बंदराच्या उदकातल्या वा जमनीवेल्या विकास कामांक एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणेंत कायमस्वरूपाची मंजुरी दिवंची आनी ते उपरांत बांदपांत येवपी प्रकल्पांक परत परत मंजुरी घेवपाची आवश्यकता आसूंक जायना.<br>नैसर्गिक वायुचो अर्थ मुखार दिल्ल्या प्रमाण लावंचो :<br>पेट्रोलियम वा केमिकल वा द्रवरूप नैसर्गिक गॅसाची ह्या पदार्थाची साठोवन दवरपाची सुवावत आनी वायु:पुनर्भरण वेवस्था.<br>सद्याच्या बंदरांतल्या सुविधांचो विकास करपाची परवानगी राज्य वा केंद्रशासीत प्रदेशांच्या दर्यादेग वाठार वेवस्थापन प्राधीकरणाकडे मेळची.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, ००८ त मंजुरीक्षम वा प्रतिबंधात्मक कामांच्या स्पश्टीकरणांसयत स्वतंत्र बंदर वाठार तयार करचो. ताका लागून व्हड बंदरां आनी हेर बंदरांखातीर एकसंघ मार्गदर्शक सुत्र तयार जातलें. | |

केंद्र सरकार

| अनु क्र. | मंत्रालय/ विभाग | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| | | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेवरवीं वाठार-तीनांत फिल्ड मदल्या बंरांचो विकास आसपावीत आसा. इंडियन पोर्ट ॲक्ट ह्या कायद्याप्रमाण केंद्र वा राज्य सरकाराक खंयच्याय नवीन बंदराचो विकास करतना बंदराची हद्द थरोवपाचे अधिकार आसात. हेसंदर्भान पावरण मंत्रालयाकडल्यान घेवपांत येवपी मंजुरीच्या अनुशंगान संबंदीत अधिसुचोवणी कितली प्रभावीत आसा. | परिशिश्ट पाचातल्या उपकलम(४) त नमूद वाठार-दोनाखातीर तयार जावपी एकवटीत वेवस्थापन येवजणेंत, दर्याच्या दिकन खंयचीय इमारत, डांबर रस्तो वा सरफेस रस्तो बांदपाक मंजुरी ना. संबंदीत कलम बंदर विकासाक हानीकारक आसा. | |
| ११. | वस्त्रोद्योग मंत्रालय | | | प्रतिक्रिया ना. |
| १२. | पंचायत राज मंत्रालय | चोडन-माडेल ग्रामपंचायत, तिसवाडी गोंय हाणीं पारित केल्ल्या प्रस्तावांत अशें नमूद कलां की दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी १९९१ बदला दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी २००८ लागूं केल्यार नुस्तेमारीचेर परिणाम जातलो तशेंच दर्यादिगांचेर उब्या जावपी बांदकामांक लागून लोकांक भौशीक सुवातेवेली दर्यादिग, चौपाट्यांचेर वावरप कठीण जातलें. म्हणून दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी लागू करपाक स्पश्ट विरोध आसा. | ग्रामसभा वांगड्यांनी दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी २००८ क मान्यता न दिवपाचो प्रस्ताव मंजुर केला, तशेंच सद्याची दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ ची अंमलबजावणी ह्यानफुडेंय आनीक परिणामकारक तरतुदींसयत सुरू रावंची असोय निर्णय घेतला. | |
| १३. | संरक्षण मंत्रालय | नॅशनल हायड्रोग्राफी ऑफिसाचे मुखेली, चीफ हायड्रोग्राफर, भारत सरकारा हांच्या तज्ञांमदीं आसपाव करचो. | दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, परिशिश्ट पाच (वाठार-दोनाखातीर एकवटीत वेवस्थापन येवजण) हातूंत सुरक्षा वेवस्थेच्या नदरेन म्हत्वाचे जागे उदा. बंदर, संरक्षण विभागाचो तळ हांचेविशीं फावो त्यो तरतुदी करच्यो. | |
| १४. | खाण मंत्रालय | | | प्रतिक्रिया ना. |
| १५. | नियोजन आयोग | पाणथळ वाठारांचें वेवस्थापन करपाखातीर गरजेची कायदेशीर आनी अर्थिक सहाय्य मेळोवपाखातीर पर्यावरण (संरक्षण) कायदो, १९८६ वरवीं घटनात्मक प्राधीकरण म्हत्वाचें आसा.<br>परिशिश्ट - तीन प्रमाण वाठार-दोनांत येवपी वाठारांच्या वळेरेंत हॉटेल आनी राबितो वाठारांचो आसपाव ना.<br>परिशिश्ट - स प्रमाण वाठार-तीनांत विकासकामांचो आसपाव वा वगळप हेबाबतीन स्पश्टता हाडप गरजेचें आसा. | सेटबॅक लायनीच्या आंखणींत बॅकवॉटरसारक्या वाठारांबाबत स्पश्टीकरण ना. तशेंच तलावांतल्यान दर्यांत येवन मेळपी उदकांतल्या नौकानयनाचो अधिसुचोवणेंत विचार जावंचो. राज्य वा केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या दर्यादिग वाठार वेवस्थापन प्राधीकरणाच्या संमतीन नौकायनाक पर्यटनाचो भाग मानचो. | |

केंद्र सरकार

| अनु क्र. | मंत्रालय/ विभाग | आसपावन घेवपासारक्यो सुचोवण्यो | | |
|---|---|---|---|---|
| | | अधिसुचोवणेबाबतचे प्रस्न | दर्यादेग वेवस्थापन वाठार | शिफारस |
| १६. | मीठ आयुक्त कार्यालय, भारत सरकार जयपूर | राष्ट्रीय आनी राज्य/केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या दर्यादेग वेवस्थापन प्राधीकरणांत भारत सरकाराच्या मीठ आयुक्ताचो आसपाव जावंचो. | | |
| १७. | अंदमान आनी निकोबार केंद्रशासीत प्रदेश | परिशिश्ट – एकांत १७ अंदमान तशेंच निकोबार केंद्रशासीत प्रदेणांतल्या सेटबॅक लायन वरवीं दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतले वाठार–चाराचो आसपाव करचो. नाजाल्यार, दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या उद्दिश्टांप्रमाण तरतूद न केल्यार अंदमान तशेंच निकोबार जुवीं जी मानवी वा नैसर्गिक धोक्यांक लागून कायम असुरक्षीत आसतात तांचो एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापनांत आसपाव करूनूय कांय उपेग जावंचो ना.<br>जेअर्थी आपणाक हें खबर आसा की दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेचे वाठार – चाराचें वेवस्थापन एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणेप्रमाण जातलें ताका लागून वाठार –चाराविशीं सविस्तर मार्गदशक सुत्रांची आंखणी करची.<br>दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत दर्यादेग वेवस्थापनाबाबत जावपी उल्लंघनाबाबत कारवाय करपी यंत्रणेचो उल्लेख ना आनी फावो त्या न्यायालयांत कागाळ दाखल करपाविशींय सुस्पश्ट प्रक्रियेचो उल्लेख ना. | | प्रतिक्रिया ना. |
| १८. | लक्षद्विप जुवीं केंद्रशासीत प्रदेशांतलें प्रशासन | | | मान्यता आसा. |
| १९. | पाँडेचेरी केंद्रशासीत प्रदेश | | खंयचीय दुरूस्ती न करता दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ अंमलांत हाडपाक जाय. | |
| २०. | दमण आनी दीव केंद्रशासीत प्रदेशाचें प्रशासन | | | |

# परिशिश्ट ४ :

दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी निमणें रूप दिवपापासत प्रा. एम. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला नेमिल्ले तज्ञ समितीच्या ता. २७ जून २००९ दिसा रूम. नं. ४०२, ४थी माळी, पर्यावरण आनी वन मंत्रालय, पर्यावरण भवन, सीजीओ कॉम्पलेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली हांगा जाल्ल्या पयले सभेचो सार

१. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी निमणें रूप दिवपाखातीर प्रा. एस. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला तज्ञ समितीची सभा ता. २७.६.२००९ दिसा पर्यावरण आनी वन मंत्रालयांत जाली. सभेक हाजीर आशिल्ल्यांची नांवां शेवटाक जोडल्यांत.

२. अध्यक्षान सगळ्या तज्ञांक येवकार दिलो आनी पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान आंखून दिल्ल्या दोन मुद्यांची पुर्तताय करपाचे नदरेन मुखावेल्या कामांचें थोडक्यान विवेचन केलें. ते मुद्द अशे (अ) प्रतिक्रियांचें विश्लेशण आनी (ब) धोरण तशेंच कायदेशीर चौकट आंखपासंदर्भान सल्लो दिवप.

३. अध्यक्षान तांच्या सुरवातेच्या भाशणांत खंयचीय अधिसुचोवणी आंखतना फुडल्या चार मुद्यांक आदारभूत मानपाचेर भर दिलो –

अ) नुस्तेमार आनी दर्यादिगेर रावपी हेर जनसमुहांची राखण आनी तांचे उपजिवीकेक घटमूट करप.

ब) जैवकच आनी जैविक विविधतायेच्या संवधरनावतीन दर्यादिग वाठाराच्या परिस्थितीकूय राखण आनीक घटमूट करप.

क) रामसार वाठार आनी ऑलिव्ह रिडले कासव प्रजनन वाठारासयत सांस्कृतीक आनी नैसर्गिक वासा लाबिल्ल्या वाठारांचें संवर्धन करप.

ड) जागतीक तापमान वृध्दीक लागून दर्याच्या पातळेंत जावपी वाड तशेंच नेमान जावपी चक्रीवादळां आनी सुनामी ल्हारांच्या संकटाक तोंड दिवपाखातीर दर्यादिगांवेल्या जनसमुहांची क्षमता वाडोवप.

४. आपल्या सुरवातेच्या भाशणा उपरांत अध्यक्षांनी सन्माननीय पर्यावरण आनी वनमंत्री, श्री. जयराज रमेश हाणीं सिमतीक उद्देशून मार्गदर्शन करपाक सांगलें. मंत्री महोदयान समितीच्या वांगड्यांक येवकार दिलो आनी अध्यक्षान आपल्या सुरवातीच्या भाशणांत म्हटिल्ल्याप्रमाण नुस्तेकार आनी दर्यादिगेर रावपी हेर जनसमुहांच्या कल्याणाचो पाया दर्यादिग वाठार नियमन/वेवस्थापन अधिसुचोवणेवरवीं घालचो अशें आवाहन केलें. आपल्या संक्षिप्त भाशणा उपरांत मंत्री महोदयान समितीच्या वांगड्यांचे उपकार आटयले तशेंच पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाचे सचीव, श्री. विजय शर्मा हांचेसयत प्रयाण केलें.

५. अध्यक्षान, अतिरीक्त संचालक, डॉ. ए. सेंथिल वेल हांकां थोडक्यान सादरीकरण करपाची विनवणी केली. डॉ. ए. सेंथिल वेल हाणीं आपल्या सादरीकरणांत दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी आनी दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या मसुद्याचेर प्राप्त जाल्ल्या सुचोवण्यो आनी मुद्याकडे संबंदीत प्रस्नांबाबत स्पश्टीकरण केलें. हातूंत, नॅशनल

फिशवर्कर्स फोरमाचे ता. २७.६.२००९ चें पत्र, मत्ससवेवसाय आनी नोंदणी मंत्र्यांचें पत्र, केरळ सरकाराचें ता. ९.६.२००९ चें पत्र, गोंयाच्या मुख्यमंत्र्यांचें पत्र, अंदमान आनी निकोबार आनी लक्षद्विप जुंव्यांच्या वेवस्थापनासंदर्भातली अधिसुचोवणेच्या मसुद्यासयत १०.६.२००९ चें पत्र वांगड्यांक वांटलें.

६. ह्या सादरीकरणा उपरांत, अध्यक्षान पर्यावरण शिक्षण केंद्र संस्थेचे संचालक, श्री. कार्तिकेय व्ही. साराभाई हांकां आपले विचार मांडपाक सांगलें. हे सभेखातीर खाशेले निमंत्रीत आशिल्ल्या श्री. साराभाई हाणीं पर्यावरण शिक्षण केंद्र संस्थेक पर्यावरण आनी वन मंत्रालयान दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या मसुद्याचेर जन-परिसंवादाच्या माध्यमांतल्यान थळाव्या जनसमुहांकडे संवाद सादून आपलो अहवाल मंत्रालयाक सादर करपाची जबाबदारी दिल्ली. आपल्या भाशणांत श्री. साराभाई हाणीं दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या मसुद्याचेर थळाव्या जनसमुहांसयत आयोजीत जन-परिसंवादांत उपस्थित केल्ल्या मुखेल प्रस्नांविशीं म्हायती दिली. श्री. साराभाई हांणीं बऱ्योच सुचोवण्यो आनी हरकतींविशीं सविस्तर स्पश्टीकरण केलें. तातुंतल्यो कांय मुखेल प्रतिक्रिया अश्यो –

अ) दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी कायम दवरची आनी तातूंत सुदारणा करची. सेटबॅक लायन, पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठार, एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापनाच्यो पध्दती आनी गजालींविशीं स्पश्टता येवंची.

ब) सद्याच्या दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ त कांय सुदारणा हाडून प्रभावी अंमलबजावणी केली आनी उल्लंघन करप्यांक कडक शासन केलें जाल्यार दर्यादेगांचें परिणामकारक वेवस्थापन करपाक फावोसो वाव आसा.

क) दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ ह्या मसुद्याची निर्मिती आनी बांदणी करपाक वेगवेगळ्या संबंदीतांचो खासा करून थळाव्या जनसमुहाचो आसपाव करचो.

ड) दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ त सुचयल्ल्या नवीन वेवस्थापन पध्दतीन तातूंतल्या तरतदींचो अर्थ दर एक जाण आपापल्या समजावणीप्रमाण लावपाक शकतलो आनी ताचो वेपारी हेतून प्रेरीत गजालींखातीर कायदेशीर वापर करूंक मेळटलो हे शक्यतेक वाव आसा.

इ) दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ क लागून खाशेले अर्थिक विभाग (सेझ) प्रकल्पांचो पुरस्कार जातलो आनी थळाव्या जनसमुहांचें मुळावे हक्क वगळावन उद्देग वाठाराक दर्यादेगांवेल्या जमीन आनी संसाधनांचो ापर करपाक वाव मेळटलो.

फ) दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ च्या वेवस्थापन पध्दतींत आनी रचनेंत थळाव्या स्वराज्य संस्था आनी राज्य सरकाराची जबबादारी तशेंच भुमिका फावो त्या प्रमाणांत मांडूंक ना. प्रस्तावीत, एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणेच्या प्रक्रियेंत थळाव्या जनसमुहांक आपलें प्रतिनिधीत्व पंचायत वांगड्यांवरवीं करपाखातीर तशेंच थळाव्या पर्यावरण आनी लोकवस्तेच्या वाठारांविशीं कामांचें नियोजन करपाक वाव दवरूंक ना.

ग) दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या मूळ उद्दिश्टांक बादीकार हाडपी खुबश्यो दुरूस्त्यो पळयल्यार, दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ तूय अश्योच दुरूस्त्यो जावन

ताचे वायट परिणाम नुस्तेकारांक भोगचे पडटले असो भंय आसा.

ह) दर्यादेग परिसंस्था आनी पारंपारीक दर्यादेगेर रावपी जनसमुहांच्या मुळाव्या हक्कांची राखण करपी कायदो तयार करचो. विधीमंडळांतल्या लोकप्रतिनिधींनी दर्यादेगविशींच्या धोरणांचेर चर्चाविर्मश करपाक सुरवात करून कायद्याचे निर्मितीचे दिकेन एक पावल फुडें घालचें.

च) दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंत शिक्षण, सामाजीक संघटन, नियमन आनी लोकांच्या सहभागाचोय आस्पाव करचो हाचेर ताणीं भर दिला.

७. श्री. साराभाई हाणीं आपल्या भाशण समारोपांत अशें म्हटलां की नुस्तेकारांची दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी १९९१ जाय कित्याक तर तातंतल्या ५०० मीटराच्या नियमन वाठाराविशीं ते समादानी आसा. ही ५०० मीटराची हद्द ते समजून फावो ती जतनाय घेवपाक शकता. ताणीं पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाक अशीय विनवणी केल्या की हो अहवाल लोकांमुखार जाहीर करचो.

८. समितीन हे सभेंत, विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान, पर्यावरण आनी वनविशींसंसदीय समितीन मांडिल्ल्या निरक्षिणांविशीं चर्चा केली. सिमतीन नोंदयल्ल्यो कांय शिफारसी अश्यो –

अ) धोरण आंखणगखातीर वयल्यान सकयल ही पध्दत आपणावचे परस सकयल्यान वयर पध्दत आपणायल्यार लोकांचो सहभाग साध्य जातलो.

ब) पुराय देशाच्या दर्जादेगांक एक सारकी वेवस्थापन येवजण लागूं करप वेवहारीक ना. समितीक अशें दिसता की दर एका राज्यांतल्या वेगवेगळ्या लोकसंस्कृतोचो विचार करून ताका धरून वेगवेगळ्या येवजण्यांचो आराखडो तयार करचो. हेखातीर, एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजणीच्या आंखणेंत राज्य सरकाराक फावोसो सहभाग मेळटलो.

क) शाश्वत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन मंडळांत स्वंयसेवी संस्था, नुस्तेकारांचो सहभाग आसचो.

ड) धोरणांत, दर्यादेगेर रावपी जनसमुहांतल्या गरीब आनी वंचीत घटकांचोय विचार जावंचो.

इ) खासा करून नुस्तेकार/दर्यादेगेर रावपी जनसमुहांच्या हितासंबंदान आशिल्ल्या समस्यांचें निराकरण करचे पयलीं दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी अंमलांत हाडपाची ताकतीक करची न्ही.

फ) थळाव्या जनसमुहांचो सहभाग, निर्णय प्रक्रियेंत विचारणा आनी नियंत्रणाचीं साधनां ह्या माध्यमांतल्यान दर्यादेगेर रावपी जनसमुहांचो विश्वास संपादन करपी यंत्रणां / साधनां, कायदो हाडमेरेन दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी २००८ प्रलंबीत दवरप.

९. सेंटर फॉर सायन्स अँड एनव्हायमेंट संस्थेच्यो संचालक, श्रीमती. सुनिता नारायण हांणी अशें मत उक्तायलां की दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी महानगरपालिका वाठारांत ५०० मीटर वाठाराच्या तरतुदींचो पुरस्कार करीत हे अधिसुचोवणेंत कांय म्हत्वाच्या प्रस्नांबाबत सुदारणा हाडपाचें मत मांडलां.

१०. अर्थ सायन्स मंत्रालयाचे सचीव डॉ. शैलेश नायक हाणीं जलीय वाठार नियमनांत हाडिल्ले खातीर मंत्रालयाक परबीं दिलीं कारण दर्यादेगांचें पर्यावरण निश्चीत करपांत जलीय चैतन्य मुखेल भुमिका निभयता.

११. अतिरिक्त सचीव, श्री. जे. एम. माऊस्कर हाणीं म्हटलां की दर्यादेगेर रावपी जनसमुहांक दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ ची वेवस्थीत कल्पना आसा. म्हुणून, एखाद्री नवी अधिसुचोवणी हाडचेबदला दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी १९९१ आनीक सुदारीत रूपांत अंमलांत हाडप योग्य थरतलें.

१२. कोस्टल सिस्टम रिसर्च एम. एस. एस. आर. एफ चे संचालक डॉ. व्हि. सेल्वम हाणीं असो मुद्दो लक्षांत हाडून दिला की नुस्तेकारांक दिसता की दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी अंमलांत आयल्यार दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या तरतुदींचें उल्लंघन केल्लीं कामां नियमीत जातलीं, नुस्तेकार आनी तांचो राबितो आशिल्लीं घरां दर्यादेगांचेर येवपी विकासप्रकल्पांक लागून मोडून उडयतले.

१३. सविस्तर चर्चे उपरांत समितीन विचारांत घेतिल्ले म्हत्वाचे प्रस्न/मुद्दे अशे –

१. दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी थळाव्या जनसमुहांक नीट कळूंक ना आनी तातुंतल्यो बऱ्योच शास्त्रीय संकल्पना वा संज्ञा अस्पश्ट आसात आनी तांचो जाय तसो अर्थ लावन गैरवापर करपाची शक्यता आसा.

२. दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेचो भर असुरक्षीत रेशा थारावपाचेर आसा. जी १) भरती–सुकती २) ल्हारां ३) सद्याची स्थिती वा हवामान बदलांक लागून दर्याच्या पातळेंत जावपी वाड आनी ४) दर्यादेगांचें विस्थापन ह्या चार गजालींचेर आदारिल्ली आसा. आतां, असुरक्षीत रेशा ही दर एका भुगोलीक वाठाराप्रमाण वेगवेगळी आसतली, ताका लागून लोकांक वा कोणाकूय सरसकट दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेवरवीं नियमन करप कठीण वतलें. असुरक्षीत वाठाराची रेशा जरी आंखून घेतल्या तरी ती आंखून घेयमेरेन गेल्ल्या कालावधींत अकस्मात व्हडा प्रमाणान विकासप्रकल्प दर्यदेगांचेर उबें राविल्ल्याचें चित्र दिसता.

३. हेबाबतीन मान्यता आसा की जमनीवेल्या वाठारांमदीं नियंत्रण दवरल्याप्रमाण उदकाच्या वाठारांतूय खासा करून भरती–सुकतेक लागून प्रभावीत भितरल्या जलीय वाठार तशेंच दर्याकडल्या जलीय वाठार हांचो आसपाव दर्यादेग वेवस्थापनांत जावंचो. पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठाराक अशेंय जमनीच्या किदेन वा दर्याच्या दिकेन आसलें तर राखण दिवंचीच पडटा.

४. सुंदरबन वाठाराची खास दखल घेवपाची गरज आसा कारण हो फकत पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठार न्ही तर दर्याच्या पातळेंत जावपी वाडीक उदकाखाला वचपाचो धोको आशिल्लो आनी सामको हालींच आयिल्ल्या चक्रीवादळाक लागून अपरिमीत लुकसाण सोंसचें पडिल्लो वाठार आसा. सुंदरबनांत रावपी लोकांक जिवीत हानी आनी संपत्तीच्या लुकसाणीचो फटको बसला.

५. चिलका, पुलिकत, पिचावरम, मन्नारचे आखात, वेम्बनाड, कोरिंगा, कच्छचे आखात अशा पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठारांच्या संवर्धनाखातीर खाशेलें लक्ष दिवपाक जाय. सविस्तर चर्चे उपरांत समितीचें अशे मत जालां की ह्या वाठारांक सामको असुरक्षीत दर्यादेग वाठार म्हूण घोशीत करचो जेणें करून तांच्या संवर्धन तशेंच राखणेखातीर वेवस्थापन येवजण जातली.

६. सेंटर फॉर एनव्हायरमेंट अँड डेव्हलपमेंट हे संस्थेक मंत्रालयान पर्यावरणाचे नदरेन संवेदनशील वाठारांचें वेवस्थापन आनी तांच्या जैवीक आवरणाची हद्द थरोवपाची जबाबदारी सोंपयल्या. समितीन तांचेकडल्यान हे बाबतींतलो अहवाल बेगोबेग मेळपाची आस्त उक्तायल्या.

७. दर्यादिगो खासा करून चौपाट्यो, पुळण हांची धूप जवन नश्ट जावपाचो मोठो धोको आसा तशेंच ताका लागून दर्यादिगांचें रूपच बदलतलं. हाचें कारण नैसर्गिक तशेंच मानवनिर्मितीय आसूंक शकता. उदा. बंदर, जेट्टी, ग्रॉयन्स, दर्यादिग राखण यंत्रणा आनी. अशेंय लक्षांत आयलां की हालींच्या काळांत केंद्र सरकार/राज्य सरकार पुराय दर्यादिगांचेर बंदर उबारपाचे तयारेंत आसा. शास्त्रीय अध्ययनाबगर अशे प्रकल्प उबारल्यार केन्नाच भरून न येवपी हानी जावपाची शक्यता आसा. एखाद्र्या प्रकल्पाचो नेमान जावपी परिणाम अभ्यासचो आनी तातूंतल्यान दर्यादिगांचें लुकसाण टाळपाखातीर धोरण आंखचें.

८. अंदमान आनी निकोबार आनी लक्षद्विप जुंव्यांची राखण करपाखातीर योग्य तो मार्ग म्हळ्यार ह्या जुंव्यांक देशाच्या हेर दर्यादिगांसावन वेगळें काडून पळोवपाक जाय. अशे स्थितींत, ह्या जुंव्यांक दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंतल्यान कुशीक काडून द्विप राखण वाठार (आयलंड प्रोटेक्शन झोन नोटीफिकेशन) अधिसुचोवणी तयार करून स्वतंत्रपणान हाताळप जातलें. अशी अधिसुचोवणी अध्यक्षान आपल्या सुरवातीच्या भाशणांत मांडिल्ल्या तत्वांक धरून करून चर्चेर हाडपाक जाता. येता त्या सभांनी ह्या मुद्याचेर चर्चा करपाचेर समितीमदीं सहमती जाली.

१४. समितीन अशी अपेक्षा उक्तायल्या की एक तक्तो करचो जातूंत एका वाटेन दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतल्यो तरतुदी आसतल्यो आनी दुसरे वाटेन ताका धरून ककरपाचे बदल मांडलेले आसतले.

१५. समितीन अशी इत्सा उक्तायल्या की पर्यावरण शिक्षण केंद्र संस्थेन घेतिल्ल्या जन-परिसंवादाचो अहवाल संक्षिप्त स्वरूपांत मंत्रालयाच्या वेबसायटीचेर दवरचो.

१६. १ सल्लागार, डॉ. नलिनी भट हांणी समितीक अशी म्हायती दिल्या की केंद्रीय म्हायिती आयोगाच्या आदेशाप्रमाण मंत्रालयान अधिसुचोवणी मसुदो जाहीर करचे पयलीं मतां आजमावंक जाय.

१६. २ समितीचं अशें मत आसा की थळावो जनसमूह आनी स्वयंसेवी संस्थांचो आवाज आयकूंक जाय. म्हुणून अशें थरयलां की जे नुस्तेकार वा स्वयंसेवी संस्थांनी दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्या मसुद्याचेर सुचोवणी वा आक्षेप दोंनयल्या तांकां समितीमुखार आपलें म्हणणें मांडपाखातीर आपयतले.

१६. ३ तेप्रमाण, केंद्रीय आनी राज्य सरकारांबरोबर चर्चा करपचो निर्णय घेतला. समितीन हेखातीर ७ जुलै २००९ तारकेक पर्यावरण आनी वन मंत्रालयामदीं केंद्र तशेंच राज्य सरकारांबरोबर सभा घेवपाचें निश्चीत केलां.

१६. ४ समिति तेचबरोबर, चेंबर ऑफ कॉमर्स, इंडस्ट्रीज ओससिएशन, आदी बरोबर ८ जुलै २००९ दिसा पर्यावरण आनी वन मंत्रालयांत सभा घेतले.

सभेचें कामकाज चलयल्लेखातीर अध्यक्षाचे उपकार आटोवन सभा सोंपली.

## सभेक हाजीर आशिल्ल्यांची यादी

१. प्रोफेसर एम.एस. स्वामिनाथन, चेअरमॅन, एम. एस. स्वामिनाथन रिसर्च फावंडेशन (एम. एस. एस. आर. एफ.) तिसरो क्रॉस स्ट्रीट, इन्स्टिट्युशनल एरिया, तारामणी, चेन्नय.

२. डॉ. शैलेश नायक, सेक्रेटरी, डिपार्टमेंट ऑफ ओशन डेव्हलपमेंट, महासागर भवन, ब्लॉक १२, सी.जी.ओ.कॉम्प्लेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली –११०००३.

३. श्रीमती सुनिता नारायण, सेन्टर ऑफ सायन्स ॲन्ड एनव्हायरमेंट, ४१, तुघलकबाद इन्स्टिट्युशनल एरिया, नवी दिल्ली – ११००६२.

४. श्री. जे. एम. मौस्कर, ॲडिशनल सेक्रेटरी, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट ॲन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

५. डॉ. नलिनी भट, ॲडव्हायसर, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट ॲन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

६. श्री. कार्तिकेय साराभाई, सीईई, अहमदाबाद.

७. डॉ. व्ही. सेल्वन, डायरेक्टर, कोस्टल सिस्टम रिसर्च, एम. एस. स्वामिनाथन रिसर्च फावंडेशन (एम. एस. एस. आर. एफ.) तिसरो क्रॉस स्ट्रीट, इन्स्टिट्युशनल एरिया, तारामणी, चेन्नय.

८. श्री. पी. मदेश्वरन, डायरेक्टर, डिपार्टमेंट ऑफ ओशन डेव्हलपमेंट, महासागर भवन, ब्लॉक १२, सी.जी.ओ.कॉम्प्लेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली –११०००३.

९. डॉ. ए. सेंथिल वेल, ॲडिशनल डायरेक्टर, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट ॲन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

## दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी निमणें रूप दिवपापासत प्रा. एम. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला नेमिल्ले तज्ञ समितीच्या ता. ०७ जुलै २००९ दिसा रूम. नं. ४०२, ४थी माळी, पर्यावरण आनी वन मंत्रालय, पर्यावरण भवन, सीजीओ कॉम्पलेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली हांगा जाल्ले दुसरे सभेचो सार

१. दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक निमणें रूप दिवपाखातीर प्रा. एम. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला तज्ञ समितीची सभा ता. ०७.०७.२००९ दिसा पर्यावरण आनी वन मंत्रालयांत जाली. सभेक हाजीर आशिल्ल्यांची नांवां शेवटाक जोडल्यांत. केंद्र आनी राज्य सरकाराकडल्यान ह्यान पयलींच मेळिल्ल्या प्रतिक्रियांचें संकलीत टिपण वांगड्यांक वांटलें.

२. पयल्या सभेचो सार वाचलो आनी तातूंत गरजेचे ते बदल वांगड्यांनी सुचयले ताची नोंद घेतली.

३. अध्यक्षान सगळ्या केंद्र आनी राज्य सरकारांतल्या प्रतिनिधींक येवकार दिलो तशेंच दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेबाबत मतां मांडपाक सांगलीं.

४. न्युक्लिअर पॉवर कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया लिमिटेडच्या अधिकाऱ्यांनी अशें मत मांडलां की अणुउर्जा निर्मिती, दर्यादेगांवेल्या आण्विक खनिजांचें खाणकाम अशा कांय कामांची खाशेली दखल दयादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत घेवपाक जाय. चौपाट्यांमदीं थोरिअमचे साठे आसतात तांकां मनणां लावन काडपाची तरतूद पुराय दर्यादेगेक लागू करची. समितीच्या अशें लक्षांत हाडून दिलें की एकदां अणुभट्टी दर्यादेगेर स्थापीत जाली की नुस्तेकारांक मुखावेल्या दर्यांत नुस्तेमारी करपाची परवानगी आसता. अणुभट्टीच्या कुलींग वॉटराक लागून नुस्तेमारीचेर कांय परिणाम जाल्याविशीं अहवाल उपलब्ध ना. हे अधिसुचोवणेंत लश्करी तळाक जेप्रमाण नमूद केलां तेचप्रमाण अणुउर्जा प्रकल्पांकूय मानचें. अणुउर्जा विभागाकडल्यान एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजण तयार करून केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाची ताचेर मंजुरी घेतले.

५. जहाज मंत्रालयाच्या अधिकाऱ्यांनी अशें मत मांडलां की जजेप्रमाण दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणी, १९९१ च्या वाठार-एकांत ग्रानफिल्ड एअरपोर्टाचो आसपाव आसा तेचप्रमाण बंदराचोय आसपाव जावंचो. अशें सुचयलां की जहाज मंत्रालयावतीन एकवटीत दर्यादेग वाठार वेवस्थापन येवजण तयार करून केंद्रीय पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाची ताचेर मंजुरी घेतले. चर्चेंत असोय मुद्दो आयलो की बरेच फावट बंदरालागीं दुसरें एखाद्रे व्हड काम सुरू आसता जाची कल्पना बंदर विभागाकूच नासता. समितीक ही गजाल सामकी गंभीर दिसता कारण अशा विसंवादाक लागून एखाद्या महाकाय कामाचो वायट परिणाम थंयसरल्या पर्यावरण, दयादेग, थळाव्या लोक हांचेर जाता. री लेगीत ताचेकडे दुर्लक्ष जावपाक शकता. म्हुणून समिती अशें परत सांगता की पुराय दर्यादेगांवेल्या बंदर प्रकल्पांक लागून जावपी परिणामांचो सर्वसमावेशक अभ्यास करचो.

६. नगर विकास मंत्रालयाच्या नगररचना विभागातल्या अधिकाऱ्यान सेटबॅक लायन थारावीक वेळेंत आंखून पुराय करची अशें मत मांडलां आनी हें करतना दर्याच्या पातळेंत जावपी वाड आनी थळाव्या वैशिश्ट्यांचोय विचार जावंचो, ताणीं अशेंय मत मांडलां की राष्ट्रीय शाश्वत दर्यादेग वेवस्थापन

मंडळांत अंदमान आनी निकोबार जुंव्यावेल्या आदिवासी आनी नुस्तेकार जनसमुहांच्य फुडाऱ्यांचो आसपाव करचो.

७. शेती मंत्रालयाच्या अधिकाऱ्यान मारीकल्चर आनी अक्वाकल्चराक कोस्टल ॲक्वाकल्चर ॲक्ट ह्या कायद्यावरवीं नियमीत करपाची मागणी केली. अक्वाकल्चर प्राधीकरणाच्या अधिकाऱ्यांक राष्ट्रीय शाश्वत दर्यादेग वेवस्थापन मंडळाचेर वांगडी म्हुणून घेवंचें अशें मत मांडलें. ताणीं अधिसुचोवणेंत ड्रेजींग आनी नुस्तेमारीखातीर बंदर बांदपाच्या कामाविशीं कांय चुको आशिल्ल्याचें नदरेक हाडून दिलें, जांकां सुदारपाची अपेक्षा केली.

८. दमण आनी दिवचे खासदार, श्री. लालूभाई पटेल हाणीं दमण-दिवचे प्रतिनिधीत्व करीत अशें मत मांडलां की दमण-दिवाक सामकी ल्हान दर्यादेग लाबल्या. एका वाटेन दर्या जाल्यार दुसरे वाटेन ल्हान - ल्हान न्हंयो आनी खाडी आशिल्ल्या भागांत दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेचो वाठार-एक लागूं आशिल्ल्यान विकासाचीं कामां आडावन उरल्यां. ताणीं अशी विनवणी केल्या की वाठार-एकांत येवपी जंगल सोडल्यार बाकी दमण-दीवाचो आसपाव वाठार-दोनांत करचो. दर्यादेग नियमन वाठार अधिसुचोवणेच्या वाठारांत मसंडभूंय बांदपाची परवानगी मेळची अशीय विनवणी ताणीं केल्या.

९. गुजरात सरकाराचे प्रतिनिधी श्री. नंदा हाणीं म्हटलां की सेटबॅक लायन आंखपाखातीर बरोच काळ वतलो आनी तितल्या काळांत दर्यादेग ववेस्थापन वाठार अधिसुचोवणेच्यो असुरक्षीत वाठार रेशो लेगीत आंखून जावंच्यो ना. ताका लागून ह्या काळांत जी नेमांची पोकळी उरतली ताचो फायदो घेत खुबशीं उल्लंघनां जातलीं. दर्यादेग वेवस्थापनांत दर्याकडल्या वाठाराचो आसपाव केल्याविशीं ताणीं तोखणाय केली. ताणीं अशेंय मत मांडलां की खारफुटीच्या जंगलाक मात सुध्दा हात लावपाचो ना आनी थंय रावपी लोकांक खारफुटी संवर्धनाच्या कार्यांत जोडून घेवंचें. दर्यादेग वेवस्थापन वाठार-दोन आनी वाठार-तीन हातूंत नमूद केल्ल्या बंदरविशीं कामांमदीं बरीच तफावत आशिल्ल्याचें ताणीं दाखोवन दिलें. तशेंच वाठार-तीनांत ड्रेजींगाचें काम वेगळें दाखयलें. तातूंत सुदारणा करची. दर्यादेग वाठारांतल्या प्रकल्पांक चार वेगवेगळ्या प्रकारांच्या मंजुरींतल्यान वचचें पडटा. ती प्रक्रिया सामकी वेळ खावपी आसा आनी ताणीं अशी विनवणी केली की मंजूर प्रक्रिया एक खिडकी प्रकार दिवंची.

१०. कर्नाटक राज्यांतल्या अधिकाऱ्यान लेगीत असो भंय उक्तायला की असुरक्षीत वाठार रेशा थरावीक वेळेच्या मर्यादेंत आंखतले काय ना. दर्यादेगांवेली येवजण आनी प्रकल्पांक मंजुरी मेळोवपाखातीर दर्या तट लाबिल्ल्या राज्यांचे प्रतिनिधी राष्ट्रीय मंडळाचेर घेवप आनी दर्यादेग वाठार-दोनांत लोकसंख्येची घनता थरोवपाचो निकश २००० वर्साच्या जनगणनेचेर थरोवपाचो. दर्यादेगांवेल्या प्रकल्पांक मंजुरी मेळपाविशीं ताणीं एक खिडकी येवजण राबोवपाची विनवणी केली.

११. तामीळनाडू सरकारावतीन हाजीर आशिल्ल्या श्री. अण्णामलाई हाणीं अशें सांगलें की तामीळनाडूच्या मुख्यमंत्र्यांनी पत्र बरोवन ह्या अधिसुचोवणेचर लोकांच्यो सुचोवण्यो आनी हरकती मागोवपाखातीर आनीक वेळ मागला तशेंच ही अधिसुचोवणी तामीळ भाशेंत उपलब्ध करून दिवपाची सुचोवणी केल्या. ताणीं अशें सुचयलां की असुरक्षीत वाठार रेशा आंखिल्ल्या जमनीकडले सुवातेंत विकास येवजण अंमलांत हाडपाक मनाय करची. हें शारांच्या विकासाचेर विपरीत परिणाम करपी थारतलें ताणीं

फुडें अशेंय सुचयलां की जंगलाकडे संबंदीत कामांक मंजुरी मळोवपाची गरज आसूंक जायना.

१२. सिडकोचे श्री. जी. एक. गील हाणीं सुचयलें की मुंबयसारक्या महानगरांक खाशेलो दर्जो दिवंचो आनी तांच्या विकासासंबंदीत नेमांचें अधिकार थंयसरल्या थळाव्या शार नियोजन यंत्रणेकडे आसचें. शारांतल्या विकासाचेर बंदी हाडप हें शारांच्या विकासाक मारक थरतलें आनी अशा शारांत ग्रामीण लोकांचें स्थलांतर आडावप शक्य ना. पुरपरिस्थितीचेर नियंत्रण हाडपाखातीर उदकांतली खारफुटी काडून उडोवपाची परवानगी मेळोवंची. श्री. गील हाणीं मुंबयतल्यो झोपड्यो आनी म्होडपाक पाविल्ल्या घरांच्या समस्येविशीं म्हायती दिली आनी लोकांक बरीं घरां उपलब्ध करून दिवपाखातीर घर बांदणीचें राष्ट्रीय धोरण अंमलांत हाडपाचें सुचयलें. ताणीं अशी मागणी केली की, दर्यादेगांवेली वा जमनीवेली असुरक्षीत वाठार रेशेवेली कार्पेट एरिया निर्देशांक गोठोवंचोन्हय आनी तो विकास नियंत्रण नेमावळीप्रमाण थरयल्लो आसा. ताणीं अशें सुचयलें की असुरक्षीत वाठार रेणा थरोवपाक स्पश्ट मार्गदर्शक तत्वां आसचीं आनी तीं एकाच संस्थेकडल्यान आंखून घेवंची. हे रेशेसंदर्भांतली म्हायती आनी नकाशे पर्यावरण आनी वनमंत्रालयान नकाशे डिजीटल स्वरूपांत आनी मोठ्या मापाचे आसचे.

१३. अध्यक्षान सगळ्या अधिकाऱ्यांचें म्हणणें आयकल्या उपरांत तांच्यो प्रतिक्रिया फावो ते पध्दतीन विचारांत घेतले अशें सांगलें.

सभेचें कामकाज चलयल्लेखातीर अध्यक्षांचे उपकार आटोवन सभा सोंपली.

सभेक हाजीर आशिल्ल्यांची यादी (७.७.२००९)

१. प्रोफेसर एम.एस. स्वामिनाथन, चेअरमॅन, एम. एस. स्वामिनाथन रिसर्च फावंडेशन (एम. एस. एस. आर. एफ.) तिसरो क्रॉस स्ट्रीट, इन्स्टिट्युशनल एरिया, तारामणी, चेन्नय.
२. डॉ. शैलेश नायक, सेक्रेटरी, डिपार्टमेंट ऑफ ओशन डेव्हलपमेंट, महासागर भवन, ब्लॉक १२, सी.जी.ओ.कॉम्प्लेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली -११०००३.
३. श्रीमती सुनिता नारायण, सेन्टर ऑफ सायन्स ॲन्ड एनव्हायरमेंट, ४१, तुघलकबाद इन्स्टिट्युशनल एरिया, नवी दिल्ली - ११००६२.
४. श्री. जे. एम. मौस्कर, ॲडिशनल सेक्रेटरी, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट ॲन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.
५. डॉ. नलिनी भट, ॲडव्हायसर, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट ॲन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.
६. डॉ. ए. सेंथिल वेल, ॲडिशनल डायरेक्टर, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट ॲन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.
७. डॉ. जितेंद्र सिंग, एन.पी.सीआय.एल, मुंबय.
८. श्री. ए. बी. अवटी, सायन्टीफीक ऑफिसर-जी डिपार्टमेंट ऑफ ॲटोमिक एनर्जी, स्ट्रॅटेजिक प्लॅनिंग ग्रूप, अणुशक्ती भवन, सी.एम.मार्ग, मुंबय-४००००१.
९. डॉ. सी. बी. जैन, प्रोजेक्ट डायरेक्टर (जे. एन. पी.बी.), न्युक्लिअर पॉवर कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया लिमिटेड, २, ई.एन.टी. ब्लॉक, नव अणुशक्ती नगर, मुंबय.
१०. कॅप्टन सुभाष कुमार, चेअरमॅन, चेन्नय पोर्ट ट्रस्ट, चेन्नय, तामिळनाडू.
११. श्रीमती मितू जोशी, डेप्युटी सेक्रेटरी (पोर्ट डेव्हलपमेंट), मिनिस्ट्री ऑझ शिपिंग.
१२. श्री. जी. पी. राय, मॅनेजर - (पी-पी-डी) जवाहरलाल नेहरू पोर्ट ट्रस्ट, ॲडमन बिल्डींग शेवा, ता. उरण, नवी मुंबय - ४००७०७.
१३. श्री. उडित रत्ना, टावन ॲन्ड कंट्री प्लॅनर, टावन ॲन्ड कंट्री प्लॅनिंग ऑर्गनायझेशन, इ. ब्लॉक, विकास भवन, आयपी. इस्टेट, नवी दिल्ली-२.
१४. श्री. सतीश कुमार, पी. एम. सिनिअर इंजिनिअर, सिव्हिल, कोचीन पोर्ट ट्रस्ट.
१५. श्री. पी. महेश्वरन, सायन्टीस्ट-एफ, मिनिस्ट्री ऑफ अर्थ सायन्सेस, नवी दिल्ल.
१६. श्री. शंकर एस., डेप्युटी कमिशनर (फिशींग हार्बर) मिनिस्ट्री ऑफ ॲग्रीकल्चर डिपार्टमेंट ऑफ ॲनिमल हजबन्ड्री, डेअरिंग ॲन्ड फिशरीज, कृषी भवन, नवी दिल्ली.
१७. डॉ. आर. अण्णामलाई, डायरेक्टर, एनव्हायरमेंट डिपार्टमेंट, पनगल बिल्डींग, सैदपेट, चेन्नय, तामिलनाडू.
१८. श्री. कंवर पाल, सेक्रेटरी, (इकॉलॉजी ॲन्ड एनव्हायरमेंट), गव्हरमेंट ऑफ कर्नाटक, बँगलोर.
१९. श्रीमती उमा अडूसुमिती, चिफ प्लॅनिंग डिव्हिजन, एम.एस.आर.डी.ए., मुंबय.
२०. श्री. एस. के. नायडू, प्रिन्सीपल सेक्रेटरी, गुजरात.
२१. श्री. लालूबाई पटेल, दमन ॲन्ड दीव, मेंबर ऑफ पार्लेमेंट, लोकसभा.
२२. श्री. जी. एस. गील, वायस सी. एम.डी. सिडको, नरिमन पॉयंट, मुंबय.

## दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी निमणें रूप दिवपापासत प्रा. एम. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला नेमिल्ले तज्ञ समितीच्या ता. ०८ जुलै २००९ दिसा रूम. नं. ४०२, ४थी माळी, पर्यावरण आनी वन मंत्रालय, पर्यावरण भवन, सीजीओ कॉम्पलेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली हांगा जाल्ले तिसरे सभेचो सार

१. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक निमणें रूप दिवपाखातीर प्रा. एम. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला तज्ञ समितीची सभा ता. ०८.०७.२००९ दिसा पर्यावरण आनी वन मंत्रालयांत जाली. केंद्र आनी राज्य सरकाराकडल्यान ह्यान पयलींच मेळिल्ल्या प्रतिक्रियांचें संकलीत टिपण वांगड्यांक वांटलें. हे तिसरे सभेखातीर चेंबर ऑफ कॉमर्स इंडस्ट्री असोसिएशन हांकां आपयल्ले. सभेक हाजीर आशिल्ल्यांची नांवां शेवटाक जोडल्यांत. केंद्र आनी राज्य सरकाराकडल्यान ह्यान पयलींच मेळिल्ल्या प्रतिक्रियांचें संकलीत टिपण

२. तारीक २७.६.०९ दिसा जाल्ल्या वाठाराचो सार आनी द्विप राखण वाठार अधिसुचोवणी मसुदो सगळ्यांक वांटलो.

३. अध्यक्षान सभेक हाजीर आशिल्ल्या वांगड्यांक येवकार दिवन दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ विशीं प्रतिक्रिया दिवपाक सांगली.

४. तामिळनाडूतल्या सी.आर.डी.ए.आय.च्या वांगड्यांनी अशें सुचयलें की असुरक्षीत वाठार रेशा आंखपाची जबाबदारी थळाव्या सरकाराक आसची. तशेंच दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत घरबांदणीविशीं स्पश्ट उल्लेख केल्लो ना म्हुणून ताचो आसपाव करचो दर्यादिग वेवस्थापन वाठारांत दर चौरस किलोमीटर ह्या चारशें व्यक्तींच्या घनतेचो निकश अदीक स्पश्ट करपाची गरज आसा.

५. केरळ बिल्डर असोसियेशनाच्या वांगड्यांनी केरळांतल्या बॅकवॉटर वाठाराक वेगळें काडून पळोवपाची गरज उक्तायली कारण केरळांत दर्यादिगांपरस बॅकवॉटराचो वाठार चड आसा आनी थंय लोकसंख्याय खूप आसा. ताणीं मंत्रालयाक अशी विनवणी केली की सेटबॅक लायन आखपाखातीर मार्गदर्शक सुत्रां तयार करची आनी हाची अंमलबजावणी करपाची जबाबदारी थळाव्या स्वराज्य दिवंची.

६. सी.आर.ई.डी.आय.च्या मुंबयतल्या वांगड्यांनी अशें सांगलें की मुंबयतले ६०टक्के लोक झोपडपट्ट्यांनी रावतात आनी लागीं लागीं १६००० पोन्न्यो इमारती दर्यादिग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंत येतात. फाटल्या कांय वर्सांत अश्यो कांय इमारती कोसळिल्ल्यान खुब जाणांक मरण आयलां. अशा झोपडपट्टी वा पोन्न्या इमारतींतल्या लोकांक चड कार्पेट एरिया निर्देशांक दिवन बऱ्या दर्जाचीं घरां उपलब्ध करून दिवप गरजेचे आसा. ताणीं मंत्रालयाक चड कार्पेट एरिया निर्देशांक पुरोवपाची विनवणी केली.

७. रिमेकींग ऑफ मुंबय ह्या संस्थेच्या वांगड्यांनी सी.आर.ई.डी.ए.आय.च्या वांगड्याप्रमाणूच मुंबयविशीं आपली भुमिका मांडली. मुंबयतल्या घरांची समस्या लक्षांत घेवन तांणीय चड वाठार निर्देशांक दिवपाची मागणी केली.

८. ए.सी.ई.लिंक्स च्या वांगड्यांनी वयर नमूद केल्ल्या प्रमाणूच आपलीं मतां मांडून दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक येवकार दिलो.

९. अल्कनी मॅन्यूफॅक्चर्स असोसियेशन आनी टाटा केमिकल्सच्या वांगड्यांनी अशें म्हणणें मांडलें की तांचे कॉस्टिट सोडा युनीट, मीठ उत्पादन युनीट आनी दर्याचें उदक वापरून तयार जावपी उत्पादनांविशीं कसलेंच नियंत्रण आसचें न्ही. दर्योदग नियमन वाठार अधिसुचोवणेंत अशा युनीटांचें आधुनीकीकरण आनी विस्तार करपाक परवानगी आसा. टाटा केमिकल्साच्या वांगड्यान अशें मत मांडलें की दर्यादेग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंतल्या झोनल प्लॅनिंगांत लोकांच्या उपजिवीकेचे प्रस्न आसपावीत केल्या. मंत्रालयान ह्या वाठारांत आशिल्ल्या प्रकल्पांनी तांची सामाजीक जबाबदारी निभोवपाची अट आसपावन घेवंची.

१०. गणेश लेन्झोप्लास्टच्या वांगड्यांनी अशें मत उक्तायलां की दर्यादेग वाठारांत सगळ्या प्रकारच्या उत्पादनांच्या स्टोरेजाची वेवस्था भरपाची परवानगी हाडची.

११. अध्यक्षान सगळ्या अधिकाऱ्यांचें म्हणणें आयकल्या उपरांत तांच्यो प्रतिक्रिया फावो ते पध्दतीन विचारांत घेतले अशें सांगलें.

सभेचें कामकाज चलयल्लेखातीर अध्यक्षांचे उपकार आटोवन सभा सोंपली.

## सभेक हाजीर आशिल्ल्यांची यादी (८.७.२००९)

१. प्रोफेसर एम.एस. स्वामिनाथन, चेअरमॅन, एम. एस. स्वामिनाथन रिसर्च फावंडेशन (एम. एस. एस. आर. एफ.) तिसरो क्रॉस स्ट्रीट, इन्स्टिट्युशनल एरिया, तारामणी, चेन्नय.

२. डॉ. शैलेश नायक, सेक्रेटरी, डिपार्टमेंट ऑफ ओशन डेव्हलपमेंट, महासागर भवन, ब्लॉक १२, सी.जी.ओ.कॉम्प्लेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली –११०००३.

३. श्रीमती सुनिता नारायण, सेन्टर ऑफ सायन्स अॅन्ड एनव्हायरमेंट, ४१, तुघलकबाद इन्स्टिट्युशनल एरिया, नवी दिल्ली – ११००६२.

४. श्री. जे. एम. मौस्कर, ॲडिशनल सेक्रेटरी, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट अॅन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

५. डॉ. नलिनी भट, ॲडव्हायसर, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट अॅन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

६. श्री. पी. मदेश्वरन, डायरेक्टर, डिपार्टमेंट ऑफ डेव्हलपमेंट, मिनिस्टी ऑफ अर्थ सायन्सेस, नवी दिल्ली.

७. डॉ. ए. सेंथिल वेल, ॲडिशनल डायरेक्टर, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट अॅन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

८. हस.ए.सी.ई.लिंक्स, १४०१, कॉन्टीनेंटल टॉवर, शेर्ली राजन रोड, रिझव्ही कॉम्प्लेक्स, बांद्रा, वेस्ट, मुंबय–४०००५०.

९. श्री. अमित राजन, महिंदगा टॉलिडेज, ८७३/४, नेताजी सुभाष प्लेस, पीटंमपुरा, नवी दिल्ली.

१०. डॉ. व्हाय.आर.सिंग, एक्सीक्यूटिव्ह डायरेक्टर, ए.एम.ए.आय.

११. डॉ. अरूप बासू, टाटा केमिकल्स लिमिटेड, अंधेरी–कुर्ला रोड, अंधेरी(ईस्ट), मुंबय–४०००५९.

१२. श्री. रमेश पिलानी, पोद्रिगीज, एम/एस गणेश बेन्झो प्लास्ट, मरीन लायन्स, मुंबय.

१३. श्री. थकानंद थॉमस, केरळ, बिल्डर्स फोरम, कोचीन.

१४. श्री. प्रकाश छल्ला, व्हाइस प्रसिडेंट, सी.आर.इ.ए.आय, चेन्नय.

१५. श्री. जी.पी. सावलानी, रेसिडेन्ट डायरेक्टर, सी.आर.इ.डी.ए.आय, १०५, अन्सल भवन, १६, के.जी.मार्ग, नवी दिल्ली.

१६. द जनरल मॅनेजर (रिअल इस्टेट), अव्हरसेकर अॅन्ड सन्स प्रा. लिमिटेड, १२५२, पुष्पांजली अपार्टमेन्टस, फर्स्ट फ्लोअर, ओल्ड प्रभादेवी रोड, प्रभादेवी, मुंबय –४०००२५.

१७. द चेअरमॅन अॅन्ड मॅनजिंग डायरेक्टर, युनिटी रिॲलिटी अॅन्ड डेव्हलपर्स लिमिटेड, के. के. टॉवर ग्रावंड फ्लोअर, परेल टॅन्क रोड, ऑफ जी. डी. आंबेडकर मार्ग, परेल, मुंबय–४०००१२.

१८. द चेअरमॅन अॅन्ड मॅनजिंग डायरेक्टर, लोक हावसिंग अॅन्ड कन्स्ट्रक्शन लिमिटेड, लोक भवन, ग्रावंड फ्लोअर, लोक भारती कॉम्प्लेक्स, मरोळ, मरोशी रोड, अंधेरी (ईस्ट), मुंबय–४०००५९.

१९. फेडरेशन ऑफ असोसिएशन ऑफ महाराष्ट्र, मुंबय.

२०. रिमेकींग ऑफ मुंबय फेडरेशन, १८, मोती बिल्डींग.

२१. श्री. डी. डी. लवानिया, युनीटी इन्फ्रास प्रोजेक्ट लिमिटेड, मंडोली प्रीझन कॉम्प्लेक्स, हर्षविहार, दिल्ली–९३.

२२. श्री. के. के. शर्मा, मँगलोर केमिकल्स ॲन्ड फर्टीलायझर्स लिमिटेड, १००२, भिकाजी कामा भवन, नवी दिल्ली–६६.

२३. श्रीमती निधी लाढा, सी.आय.आय. थापर हावस सेकन्ड, १२४, जनपथ, नवी दिल्ली.

## दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी निमणें रूप दिवपापासत प्रा. एम. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला नेमिल्ले तज्ञ समितीच्या ता. ११ जुलै २००९ दिसा रूम. नं. ४०२, ४थी माळी, पर्यावरण आनी वन मंत्रालय, पर्यावरण भवन, सीजीओ कॉम्पलेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली हांगा जाल्ले चवथे सभेचो सार

१. दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेक निमणें रूप दिवपाखातीर प्रा. एम. एस. स्वामिनाथन हांच्या अध्यक्षतेखाला तज्ञ समितीची सभा ता. ११.०७.२००९ दिसा पर्यावरण आनी वन मंत्रालयांत जाली. चवथ्या सभेंत नुस्तेमार आनी नुस्तेमाऱ्यांच्या संस्थांक निमंत्रीत केल्ले. हे सभेक हाजीर आशिल्ल्यांची नांवां शेवटाक जोडल्यांत.

२. अध्यक्षान सभेक हाजीर आशिल्ल्या वांगड्यांक येवकार दिवन दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी, २००८ हाचेर आपलीं मतां मांडपाक सांगलीं.

३. ऑल इंडिया फिशर्स ॲन्ड फिशरीज वर्कर्स फेडरेशनाच्यो जनरल सेक्रेटरी श्रीमती के. हेमलता हाणीं अशें मत उक्तायलां की दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणी अंमलांत हाडली जाल्यार हजारांनी नुस्तेकार विस्थापीत जातले आनी तांचे उपजिवीकेचेर वायट परिणाम जातलो. व्हड-व्हड उद्येगीक प्रकल्प, औष्णिक प्रकल्प, बंदर, आदींचें बांदकाम दर्यादिगांचेर जाल्यार नुस्तेकारांची जीण उध्वस्त जातली. ताणीं अशें सांगलां की, दर्यादिग नियमन अधिसुचोवणी वाठाराक लागून विकास कामांचेर नियंत्रण आसा. तर हाचे उरफाटें दर्यादिग वेवस्थापन वाठार अधिसुचोवणेंत उद्येगधंदे, रिसॉर्ट, ग्रीन फिल्ड एअरपोर्ट हांकां दर्यादिगांचेर उबारपाची सवलत आसा. फेडरेशनान खंयचीय अधिसुचोवणी करचे पयलीं व्हडा प्रमाणान लोकमत आजमावपाची विनवणी केली. ताणीं अशेंय सांगलां की दर्यादिगांवेल्या विकासाचें खंयचेंय काम ग्रामसभेच्या परवानगीन जावपाक जाय. राष्ट्रीय मंडळाचेर ट्रेड युनियनांतल्या नुस्तेकारांच्या प्रतिनिधीक घेवंचें.

४. अहमदाबाद हंगसरले पर्यावरणइश्ट श्री. महेश पंड्या हाणीं के. हेमलता हांच्या म्हणण्याक तेंको दीत गुजरातांतल्या खासा करून मुंद्रा हांगसरल्या दर्यादिगांवेल्या उल्लंघनाच्या समितीमुखार उलगडो केलो. मुंद्रा भागांत सेझच्या विकासापासत मोठ्या प्रमाणान खारफुटीचो विध्वंस सुरू आशिल्ल्याचें समितीच्या लक्षांत हाडून दिलें. हाचेआड खंयच्याय सरकारी यंत्रणेन प्रतिबंधनात्मक पावल उखलूंक ना.

५. जुहू नारायण, जुहू मोरागावचे अध्यक्ष श्री. मंगेश हाणीं मुंबयतल्या नुस्तेकारांच्या जिणेंतली हल-राखीची परिस्थिति समितीमुखार मांडली. झोपडपट्टी पुर्नविकासाच्या नांवाखाला नुस्तेकारांच्यो जमनी बिल्डरांच्या ताब्यांत दिवपाचे प्रयत्न राज्यशासनावतीन जातात आनी नुस्तेकारांक ताच्याच जाग्यांतल्यान विस्थापीत जावपाची परिस्थिति आयल्या. वर्सोवा गांवांतल्या बेकायदेशीर इमारतींच्या बांदकामांआड ताणीं गेलीं कांय वर्सा चलयल्ल्या कायदेशीर संघर्शाचे फोटो समितीचे नदरेक हाडून दिले. ताणीं समितीक अशी विनवणी केली की नुस्तेकार समाजाच्या लोकांक तांच्या वाडट्या कुटुंबांक आसपावन घेवपाखातीर तांकां घरां बांदपाचीं आसल्यार ताचेखातीर चड कार्पेट एरिया वाठार निर्देशकांची गरज आसा.

६. पुणे हांगसून आयिल्ले श्री. रवींद्र डी. भोसले जे खरे ०८.०७.०९ च्या विकासकांच्या सभेक हाजीर रावपाचे आसले. मात उपस्थित रावपाक शक्य जावंक नाशिल्ल्यान ताणीं सभेते हाजीर रावपाची विनवणी केल्ली. ताणीं सिमतीक अशें सुचयलें की दर्यादेगांवेल्या उंचेल्या वाठारांत पर्यटन प्रकल्पांक परवानगी दिवंची.

७. म्हाडा अध्यक्ष श्री. टि. एम. पवार हाणीं समितीक अशें सांगलां की, मुंबयत १०,००० अर्थिक नदरेन कमकुवत घटकांतल्या लोकांक खारफुटीच्या वाठारांत मेळिल्ले प्लॉट विकसीत करपाक जायना. ताणीं समितीक अशी विनवणी केली की ह्यासंदर्भान अधिसुचोवणेंत गरजेची तरतूद करची.

८. ग्रीस पीसाच्या प्रतिनिधीनी वयल्या म्हणण्याक आपलो तेंको दिलो.

९. अध्यक्षान सगळ्या अधिकाऱ्यांचें म्हणणें आयकल्या उपरांत तांच्यो प्रतिक्रिया फावो ते पध्दतीन विचारांत घेतले अशें सांगलें.

सभेचें कामकाज चलयल्लेखातीर अध्यक्षांचे उपकार आटोवन सभा सोंपली.

## सभेक हाजीर आशिल्ल्यांची यादी (११.७.२००९)

१. प्रोफेसर एम.एस. स्वामिनाथन, चेअरमॅन, एम. एस. स्वामिनाथन रिसर्च फावंडेशन (एम. एस. एस. आर. एफ.) तिसरो क्रॉस स्ट्रीट, इन्स्टिट्युशनल एरिया, तारामणी, चेन्नय.

२. डॉ. शैलेश नायक, सेक्रेटरी, डिपार्टमेंट ऑफ ओशन डेव्हलपमेंट, महासागर भवन, ब्लॉक १२, सी.जी.ओ.कॉम्प्लेक्स, लोधी रोड, नवी दिल्ली -११०००३.

३. श्रीमती सुनिता नारायण, सेन्टर ऑफ सायन्स अॅन्ड एनव्हायरमेंट, ४१, तुघलकबाद इन्स्टिट्युशनल एरिया, नवी दिल्ली - ११००६२.

४. श्री. जे. एम. मौस्कर, ॲडिशनल सेक्रेटरी, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट अॅन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

५. डॉ. नलिनी भट, ॲडव्हायसर, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट अॅन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

६. डॉ. व्ही. सेल्वन, डायरेक्टर, कोस्टल सिस्टम रिसर्च, एम. एस. स्वामिनाथन रिसर्च फावंडेशन (एम. एस. एस. आर. एफ.) तिसरो क्रॉस स्ट्रीट, इन्स्टिट्युशनल एरिया, तारामणी, चेन्नय.

७. श्री. पी. मदेश्वरन, डायरेक्टर, डिपार्टमेंट ऑफ डेव्हलपमेंट, मिनिस्टी ऑफ अर्थ सायन्सेस, नवी दिल्ली.

८. डॉ. ए. सेंथिल वेल, ॲडिशनल डायरेक्टर, मिनिस्ट्री ऑफ एनव्हायरमेंट अॅन्ड फॉरेस्ट, नवी दिल्ली.

९. ॲडव्होकेट लक्ष्मण नारायण, बेडेटर, रूम नं. १०७, शास्त्री नगर, प्रतिक्षा नगर, सायन (पूर्व), मुंबय, मोबायल : ०९२२१००४०९३

(ए) फ्रेंडस् ऑफ सोसायटी - एनजीओ

(बी) नॅशनल असोसिएशन ऑफ फिशरमॅन

(सी) कोळी महासंघ, मुंबय.

१०. श्रीमती के. हेमलता, जनरल सेक्रेटरी, ऑल इंडिया फिशर्स अँड फिशरीज वर्कर्स फेडरेशन, बी.टी. रणदिवे भवन, १३-ए, रोज ॲव्हेन्यु, नवी दिल्ली. मोबायल : ९८६६२८०४१०

११. श्री. महेश पांड्या, पर्यावरणइश्ट, ५०२, राज एव्हेन्यु, थलतेज, अहमदाबाद - ३८००५९. टेलिफोन : (०७९) २६८५१८०१ / २६८५१३२१.

१२. श्री. मंगेरा, चेअरमॅन, जुहू नारायण, जुहू मोरागाव, आर. आर. एम. रोड, जुहू, मुंबय.

१३. श्री. संजीव गोपाल, ६०, रिचमंड लॉन, बँगलोर - २५.

१४. श्री. राहूल एन. परवेश, ७१ बी, रत्नसनत सोसायटी, न्यु डी. एन. रोड, अंधेरी वेस्ट, मुंबय -५३.

१५. श्री. रवींद्र डी. भोसले, श्रृती व्हिला, यमुना नगर, हिगडी, एस. नं. २१, प्लॉट नं १००, प्राधीकम, पुणे - ४११०४४. मोबायल : ९८८१६३६५५८.

१६. श्री. टी. एस. पवार, प्रेसिडंट, म्हाडा, भूखंड, मुंबय. मोबायल : ०९८९२७८२४०८.